# चिन्मंगी

दिवाळी १९९४

१० रुपया

*With Best Compliments from :*

## M/s. KASHINATH DAMODAR NAIK

CNF Agents for
Britannia Industries Ltd;
Cadbury India Ltd;

## DEVIKA BEVERAGES PVT. LTD;

Manufacturers of Duks's Range of Soft drinks

## M/s. COMMONWEALTH DEVELOPERS

Promoters of :

| | |
|---|---|
| " CD Retreat " | - Nuvem |
| " CD Marigolds " | - Fatorda |
| " CD Synphony " | - Colva. |

'चित्रंगो' क परबीं

# दयानंद नार्वेकार

हळदोणें - गोंय

दिवाळी अंक १९९४

वर्स १५
अंक १६

# चित्रंगी

बायलांच्या जिवितांचें पडबिंब

संपादक
**हेमा नायक**

मुखचित्र,
**श्रीधर कामत बांबोळकार**

जायरात वेवस्थापक
**पुंडलीक नारायण नायक**

छापपी
**हिरू नारायण नायक**
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय, फोंडें - गोंय

उजवाडावपी

**हेमा पुंडलीक नायक**
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें
गोंय ४०३ ४०१

**मोल : १० रुपया**

आमचे मानादीक बरोवपी, कविता सर्तित भाग घेतिल्ल्यो कवयित्री, अर्थिक धिटाय दिवपी जायरातदार, जायराती मेळोवन दिवपाक कश्ट काडपी आमचे बरें मागते, कविता सर्तिचे परीक्षक श्री. प्रकाश नायक आनी श्री. प्रकाश पर्येकार, तशेंच अपुरबाय प्रिंटसंचे धनी आनी तांगेले कुशल कामदार, तेचपरी आमचे असंख्य बरें मागपी हांचे काळजाथावन उपकार !
समेस्तांक नवें वर्स सुखासमाधानाचें वचूं.

---

अंकातलीं मतां त्या त्या बरोवप्याचीं

**– संपादक**

कथा

जयमाला दगायत / ताजो इच्छा
विजया पं. धुंगट / कळसूत्री बावली
ज्योती कुंकळकार / अप्रूप याद
सुरेखा तोटेकार / म्हजो बाबा
सुशीला टी. भट / साळग्राम
अंगीता नगर्सेकार / वंशवेल

---

लेख

पिसोळचांचें जग / सुमेधा कामत

---

कविता सतितल्यो जेतिवंत कविता

अमिता गावणेकार, प्रफुल्ला आत्मा नायक, दलीया मडकयकार,
अंजू वांयगणकार, प्रमिला होबळे, प्रिया मावजे




# ताजो इच्छा

जयमाला ना. दणायत

"आतां पुरो गो बाय. थांबय तुजें रडप. कितलो बेप अशें दंळे गाळीत बसतलें सांग तूं ? जालां तें एका अर्थान बऱ्याखातीर म्हणूंक जाय. त्या मांसागुळ्याक ना सुद ना बुद ! कितलो तेप सांबाळटलें आशिल्लें तें ओजें तूं ?" फाटीर हात दवरून, कुशीन घेवन मावशी नीनाक समजायताली. पूण तीक्ष्ण नदरेन मावशेकडेन पळोवन, आपणाले फाटीवेलो तिजो हात कडेक काडून नीनान आपली तकली धोपराचेर उमथी घाली, आनी तें हुंडकेवंक लागलें. "पोरा, एक उतर तरी उलय मुगो ! तूं अशें भितल्ले भितर फुगार जाता तें पळोवन म्हज्या काळजांत कितलें तुटता तें कशें सांगूं तुकां ? आगो, जल्माक आयिल्लें तें घेणेकरी आपणालें रीण तुमचेकडल्यान फारीक करून गेलें अशें समजूवप आनी आसा तांतून सुखान दीस काडूंक शिकप." ये तसावन मावशी तरातरांनी नीनाक समजायताली. ताका उलोंवक लावपाचे येत्न करताली, पूण ताजे हुंडके काय थांबपाचे अवस्थेंत नाशिल्ले. ताज्या मनान आकांत मांडिल्लो. 'मांय मरूं आनी मावशी उरूं म्हण्टात, ते मावशेन लेगीत अशेंच म्हणप ? हेर लोकांनी म्हळ्यार सोबता. "पूण मावशे तुवें लेगीत ताका 'ओजें' म्हणप ? आवयक केन्ना भुरग्याचे ओजें जाता गे ? तशें जाल्यार म्हजें एके आवयचें मनच तुका समजूं ना अशें म्हणचें पडटलें." "तिजें ओजें" हें उतर ताज्या मनाक चड लागिल्लें. आवयक केन्ना

भुरग्याचें आंजेंजांव येता ? म्ह या दुःखान तुजें काळीज तुटता मागीर म्हजें तर भुरग्येंव सासणाचें ना जालें – गेलें परत न येवपाचे वटेन ! म्हजें मन कितलें मोडपाचें ? डॉली डॉली करून मोठ्यान आरड मारची. बोबो हुवेली मारून मोठ्यान रडवें–आपणालें काळीज पिजून लोकांक दाखोवचें अशे कितेशेंच पिशांतरावरी ताका दिसलें.

मोठ्या प्रयासान ताणें आपणाल्या मनाचेर ताबो दवरलो. भितल्ले भितर तें खुदळत आशिल्लें. आनी ह्या सगळ्या शारीरीक तशेंच मानसिक त्रासान ताका एकदम गळिल्लेवरी जालें. रडाना आयिल्लेवरी तें तशें शेंदरेर पडून रावलें. कोणेंतरी वेगीन दोतोरान दिल्ली गुळी ताज्या तोणांत दवरली आनी उदक दिलें.

डॉलीक वचून आज बारा दीस जाल्ले. ल्हान भुरग्याचें सुतक खंय धरीनात. पूण तशेंय पळेल्यार सुतक सोपिल्लें. नीनाचे दोळे खीण खीणाक भरून येताले हे दीस कशे कांडील्ले ताजें तेंच जाणां ! सतत कोण ना कोण मेळूक येतालें. सोयरींधायरीं, लागीचीं, पयसुल्लीं, बिल्डींगेलीं, दा.यच्याय ऑफिसांतली, गाडयेंतलीं. घरां ल्यानी तर ह्या दिसांनी ताका एकलें म्हणून सोडूंक नाशिल्लें, "जालें तें जालें. देवाची इच्छा. नशिबामुखार कोणाचें कितें चलता ? वचपी वता, पूण देहधर्म कोणाक सुटूंक आयला ? अशें आनी तशें तत्वज्ञान सांगून दोन गोटे पोटांत धुकधूंक फोर्स करतालीं. पूण तें अन्न विखासमान जाल्लें ताका ! तोणांतलो घास तोणातूच घुवतालो. जाय जायशें दिसून लेगीत ताका एकलेपण मेळनाशिल्लें. चलयेच्या वचपान रिती जाल्ली मनाची पोकळी शांतपणान मनांसारकीं दुकां गळोवन भरून काडूंक लेगीत जमनासले. त्यामनान आज मात्सो सुसेग आसलो. मेळपाक येवपी मनशांय आतां कमी जाल्लीं लोक म्हणून कितें, चार दोस चुरचुरतात आनी जालें. ताजें नशीब म्हणून आपल्या मार्गाक लागतात.

घरचीं स्पष्ट उलयनासलीं तरी सगळ्यांचो सूर एकच आशिल्लो. " जाता तें बऱ्याखातीर म्हणूंक जाय. हाजेफुडें व्हड जातगीच तें पोर कशें जियेतलें आसलें ? आतांच उबारपाक त्रास जाताल्लो, म्हाण घालपाक लेगीत सोपे काम नाशिल्लें. वयांत येतगीच सायबिणी कितें जातलें आशिल्लें देव जाणां !" हीं असलीं काकूट करपी उलोवणी कानळून ताका भारी त्रास जाताले. मन भरून येतालें. कितलेंय जाल्यार आवयचे मन ताजें ! आपलें भुरगे निखटो मांसाचो गुळो आसूं काय शेणाचो लोळो - आवयक कशें नाका जातलें ? ताजेबद्दल असलीं उलोबणी कशीं आयकूंक जमत ? तें बबडें दोळ्यांतल्यान दुकां गळयत बसून रावतालें. घरचे लोक ताका तळटावेलो फोड कसो सांबाळटालो. आवय-बापूय आऱ्यापयऱ्यान आशिल्लेच. पूण आज मावशेनय येतसावन हें आनी अशेंच उलोवणे सुरू केल्लें पळोवन ताका भारी वायट दिशिल्लें. आवयपरस चड मोग करपी आपले हे मावशेक तरी आपलें मन सारखे कळटलें अशें ताका दिशिल्लें, पूण ती उतरां आयकूंक ताका खूब वायट दिसलें.

कोणाकच आपलें मन कशें कळना हाजे ताका रावन रावन अजाप दिसतालें. बाकीच्यांचें सोड पूण देवदत्त-डॉलीचो पप्पा-ताकाय कांय दिसना ? ताणें तर कामाक लेगीत वचूंक सुरवात केली. म्हणजे घरच्यांनी, ताज्या इष्ट मित्रांनी फॉर्सान ताका धाडलें खंय. काल म्हणटालो, "नीना घरा बसून बसून चड त्रास जातले तुका. तूंय आतां कामाक वचूंक लाग. चारचौगांत मिसळटगीच दुःख मात्शें व्हव जातलें. वेगळ्या वातावरणांत गेलेबगर तुका ताजो विसर ना" 'विसर पडचो ना खंय. म्हजे चलयेक हांव ह्या जल्मांत कशें विसरन ? ताका णव म्हयने पोटांत सांबाळ्ळां. हांवें ताज्यो खस्ती खाल्यात. ह्या दादल्यांक उलोवक सोपे ! खरेंच काय देवान दादल्यांचे आनी बायलांचे मन वेगळें केला ? कूड एक वेगळी आसता पूण मनशाचें मन, भावनाय दादलो बायलो म्हणून वेगळे आसता काय ? तेन्नाच प्रश्न पडलो ; मागीर इतलो तेप देवदत्ताचे वागणे किते फाल्स आशिल्लें ? न्हंय तो तरी देखावो न्हंय - मनीस नाटक चार दीस करीत पूण वर्सान वर्सा - पांच वर्सां सतत नाटक कशें करत ? – केन्ना तरी ताजें रुपडें सरकून पिळ अशें जावपाचे न्हंय !' नीनाचें मन साऱ्कें गोंदळून गेल्लें. खरें कितें फट कितें ताजे ताकाच कळना जालें शिकून ताणें थंयच हातरूणार आंग तेवयलें कूड एक पोझिशनात स्थीर केली. पूण मन कशें स्थीर उरत ? चार सुखाचे खीण टिपूंक ताज्या मनाचे शेवणे भोवन भोवन फाटल्या यादीनी रिगूंन पळेताले. वर्तमानाचें दुःख तितल्या वेळापुरतें विसरायेर पडटालें.

कशे सुखान भरून थिबकताले ते म्होवे दीस ! घर मेळिल्लेंय हौशी भरिल्लें आनी अर्थ अपुरबायेचें ! सुनेक खंय दवरूं आनी खंय नाका जाल्लें घरच्यांक.

तेंयूय मोठें लागोळें ! – वता थंय मनशां सामकीं दसोवन घेवपी ! कुळारच्या मायेमोगाच्या झोपाळचावेल्यान घरा कवतीकांच्या म्हाणायेर उठ बस करतालें. देवदत्ताक तर ताज्या शिवाय काय सुचच नाशिल्लें – रुचय नाशिल्लें. सणापरबेचे निमतान ताका कुळारा व्हेल्यार हें ना तें निमित्त काडून रोकडेंच वचून ताका घरा घेवन येवचें ताणे - दिसरात तोणांत नीन ो जप ! कोणेंय हाजेर मस्कऱ्यो - फकाणां केल्यार ताजे व्हंवेक लेगीत लागनासलें – वेल्यान हासून सोबोवन व्हरतालो – पूण ताका मात लेगीत पाते नासलो !

आनी अशा सुवाच्या पायवडयार चलतना 'जायनाका" जालें. तोणातल्यान उतर काडची फुरसत – ताजे दुवाळे पुरोवक घरची, कुळाराची सामकी चडाओड सुरू जाली. पांचवे म्हयन्याची चोर होंट लेगीत मांयन गांवभर लोकांक आमंत्रणा करून गाजत वाजत भल्ली. मागीर सातव्या म्हयन्यावेलीं फुल्लां, नवव्या म्हैन्यावेलीं फुलां – झोंपाळचार बसोवन, चान्न्यांत, बागेत होडयेंत – ते तरेकतरेचे भेसांतले फोटो – तीं तरेकवार जेवणां – कांय विचारूं नाका ! पैशे आशिल्याचे हौशीक अंत ना पार ! हौशेक भॉल ना म्हणटात – दोनुय घराणीं आस्तिक मागीर अर्थ अपुरबायेक कितें उगें ? अशा ह्या सुखांत णव म्हयने केन्ना सल्ले तें लेगीत कळ्ळें ना. शारांतल्या बऱ्यांत बऱ्या हॉस्पीटलांत ताजें नांव घाल्लें. दर आठ पंदरा दिसानी खासा देवदत्त नातर माय आवय कोणतरी ताका दोतोरागेर व्हरून हाडटाली. णवय म्हयने पुराय जतनाय घेतिल्ली. ताणे ऊं केल्यार लेगीत चौग जाणां म्हऱ्यांत धांवत येतालीं – कितें जाता, खंय दुखता हजार चौकशांक तोंड दितना बाबडयाक पुरो पुरो जावन वतालें आनी सारके दीस भरल्लीच एक दीस ताज्या पोटांत दुखूक लागलें. लेबर रमांत वेणेचेर वेणी येवन तें जाम जाल्लें आनी त्या कळांचे दुःख देवदत्त भायर भोगतालो. – चलो जाय, चली जाय करून एकामेकांकडेन घाल्ले लटके वाद येवजून बेठोच याण जातालो. सुख भोगप दोगांनी पूण त्यापसत जावपाच्या मरणप्राय यातनांक तोण मात बाबडें नीना एकटेंच दिता म्हणून मनांत खंती जातालो. आपल्या अपुरबायेच्या नीनाक चड त्रास जांव नये म्हणून देवाची प्रार्थना करीत आखी रात ताणेंय भायल्या बल्कावार जागून काडिल्ली. उदेंतेक सूर्य मळबांत वयर आयलो आनी भितल्यान नर्सीन येवन ती 'गुड न्यूज' ताका दिल्ली. "वर्फी हाडात बर्फी – बावली कशी गोरी पेट्टू सोबीत चली जाल्या तुमकां –" ताणेंय रोकडेंच भितर वचून नीनाची खबर घेतिल्ली आनी आपल्या डोळ्यांनी ह्या संसारांत आयिल्लो तो नवो जीव तोखेवन धादोस जाल्लो. मागीर त्याच दिसा बर्फी हाडून 'म्हज्या डॉलीची बर्फी हा' म्हणून आख्या हॉस्पीटलाक आपल्या हातान बर्फी वाटिल्ली.

पयली वयली नात म्हणून डॉलीची दोनूय घरांनी खूबच अर्थअपुरबाय जाताली. आजो-आजी काका-काकी आत्या, मामा कोणच ताका मात्तय पातेनासली ताज्या रुपान दोनुय घरांक एक खेळणे मेळील्लें म्हळ्यार जाता. ताजो पयलो हुंकार, हांसप - रडप, थंयचे थंय हात पाय वयर उडोवन खेळप सगळ्याचेच नवनवलाही – कौतुकाचें जाल्लें. पूण तीन म्हयने सरळसुत वाड जावपी डॉलीच्यो हालचाली कळत – नकळतशो मंदपण च्यो जावक लागल्यो तरी कोणाक कसलोच दुबाब येवक ना. वेल्यान ताजेंय कौतुक – चली मोठे गुणाचें शात-थंड-रडना, पोट भरल्यार पुरो, सुस्त पडून रावता. करून ताजेंय तोखणायो जातालो. पूण एक दीस दुबय रावपी नीनाची दोतोर मैत्रीण सुनीता ताका मेळूंक म्हणून आयली आनी डॉलीक पळोवन दुबाद्याची पाल तिज्या मनांत चुकचुकली. चार पांच म्हयने जाले तरी डॉलीचे दोळे जाय तशे स्थीर नात, लाळ गळटा, फाटिल्या कण्याक जाय तितलो ताठपणा ना. हातापायांची हालचालय स्थीर अशी ना. तोंडान फक्त हांव हांव असो आवाज काडप, भूक लागल्यारच रडप – ह्या सगळ्या लक्षणांनी तिजे मन दुबावलें. तिणे देवदत्ताक

'चित्रंगी' क परबीं

**वर्षा बुक स्टॉल**

आझाद मैदानालागीं, पणजी

सगळे तरेचीं पुस्तकां आनी वेगवेगळ्या भासांतलीं वर्तमानपत्रां आनी मासिकां मेळपाची सुवात

भायर व्हरून व्हवू व्हवू कितें सांगलें आनी देवदत्तान थंयचे थंय तकलेर हात धेवन जमनीर बसकण माल्ली. तिणेच मागीर ताका शांत केलो – समजायलो आनी सगळें धीरान घेवन दुबावाचें निरसन करूंक बऱ्यांतल्या बऱ्या स्पेशलीस्टाची अपोंयन्टमेंट घेवन दिली.

"इतलीं शिकिल्ली सवरिल्लीं मनशां तुमी, तुमकां डॉलीचो दुबाव कसो आयलो ना ?" तिणें घरांतल्या जाण्टयांक विचारिल्लें – पूण ताणीं जायत सावन डॉली तशें आगापांगान घसघशीत, तकली मेळी – मागीर आसता एकेक भुरगें मात्शें मंद, उसरां उमथें पडटा, उसरा मान धरता, पोट ओडटा ; जातलें व्हवू व्हवू सारखें अशें दिसले म्हणून सांगलें. सुनीतान नीनाचे दोतोऱ्नीक दोष दिल्लो ; आतां बैजकी मळार नवेनवे सोद लागल्यात. भुरगें जायनाफुडे तांचे नाळेंतलो एक रक्ताचे थेंब घेवन तपासून ताज्येर भुरगें नॉर्मल आसा काय ना तें समजता. ताजेर रोकडेच उपाय जांव येतात हें कितल्या जाणाक खबर आसता ? कितले दोतोर ही अशी तपासणी करतात ? वेळार जाय ती ट्रिटमेंट मेयळचार हीं असलीं मतीमंद भुरग्यां बऱ्या नॉर्मल भुरग्यांवरी जाव येतात अशें ताणें सांगिल्लें. खरें म्हळचार आपलें भुरगें मतीमंद आसा हें मानूंक कोणच तयार नासता. जेन्ना मानून घवचें पडटा तेन्ना दु खाक फुडो करचोच पडटा. पूण असले तपासणीकडेन लोक नसतें फॅड म्हणून पळेतात – वेठ्ठो पैशे कापपाचीं कामां अशें समजतात. अजून तरी आमच्या देशांत असली तपासणी सर्रास सगळ्या हॉस्पीटलांनी जायना अशे जाल्लें जाल्यार कितलें बरें जावपाचें ? डॉलीचे हे फुडले हाल तरी जांवचे नासले अशें केल्यार कुटूंब, समाज आनी पर्यायान देश निरोगी जावंक आधार जावपाचो – हजार विचार नीनाच्या मनांत येवन गेल्ले त्यावेळार ! पूण उपेग कितें ? एका थेंबान वता तें घागरीनी लेगीत परते येना. टायमार सगळें जुस्ताजुस्त जाल्यार हें अशें जावचेंच नासलें. नीना सदांच आपल्या नशिबाक आनी दोतोराक दोष लायतालें. येदी व्हडली फामाद दोतोरीण – पूण तिका हेंच कशें लक्षांत आयलेंना कर्म आपलें ! नशिबांत आसा तें चुकूंक आयलें ना. डॉलीचें लुकसाण आपणेंच केलें अशें दिसून ताजेंच मन ताका भितल्ले भितर खायत रावतालें – हें सगळें समजतसावन तें डॉलीक कोणाचेरच पातनासलें. ताजें सगळें आपुणच करतालें आपलो सगळो वेळ ताजेखातीर घास्तार करतालें. ताका एक खीण लेगीत पैस करी करीनासलें.

सगळें समजतगीच ट्रिटमेंटांत कांयच उणें जालें ना. उदकाभशेन पैसो व्हांवयलो–इंग्लंड, अमेरिकेक लेगीत व्हरून हाडलें. हो द.तोर तो दोतोर, कोण म्हण्टा तो वैद्य – होमिओपथी, ॲलोपथी, आयुर्वेदीक सगळ्यो सगळ्यो पथी झरयल्यो. कोण कितें सांगता तें तें केलें – पूण सगळें व्यर्थ ! शेवटाक मनीस म्हणचें नशिबाच्या हातांतलें खेळणें ! नशिबाची दोरी देवाच्या हातांत आनी तो ती जशी ह लयत। तशें कळसुत्र्यां बावलेपरी मनशाक नाचचें पडटा. झाडाचें पान लेगीत ईश्वराचे इच्छेन हालता ही लेगीत ताजीच येवजण. देव सत्वपरिक्षा पळेता अशें मानून देवधर्माचेर अंधविश्वास नाशिल्लीं तीं दोगा.य, डॉलीक घेवन ताणीं सगळ्या देवांचे हुमरे झरयले. कितेंय कितेंय जांव कशेंय जाव डॉली सुधारूंदी एकदाचें अशें तांकां जाल्लें त्या पसत कितेंय करूंक ती तयार आशिल्लीं.

मनशाचे जीणेंत अशीं जायतीं मोडां येतात, अशे जायते खीण येतात, संकटां येतात तेन्ना कोणाचो तरी आधार ताका जाय दिसता, कोणेंतरी विश्वासान फाटीर हात भोंवडावपाची गरज आसता आनी मनशाचे

*With Best Compliments from*

Goa Enterprises

Dealer in Genuine Parts for
Automobile Earthmoving Pneumatic
Machinery, Cummine, Jeep & Leyland
Engine Spares,

E/21, Shenoi Goeoab Marg
Bicholim - Goa

कमकुवतपणाचो फायदो घेंवक टपिल्लीं मनशां .तांकां लुबाडूंक तयारच आसतात. ह्या देवाक नवस कर, त्या देवीची होंट भर, नारायण बळी कर, नागवळी कर – भांगराचो सोरो दान कर – हें कर आनी तें कर ! डॉलीच्या नावान कितले जाणांनी तांका अशें धूवन व्हेलें कोंत आनी हिशेब ना. डॉलीन थोडीशी जरी उदरगत केल्लेभशेन दिसल्यार तांची आशाळभूत मनांक धादोसकाय भोगची. जांव हां हाजो उपेग जालो, ताजी सासाय अशें तितलेपुरतें दिसचें. पूण पांच वर्सांनी सगळे उपाय व्यर्थ थारावन साधें जोर आयिल्लें निमित्त जावन डॉलीन दोळे वरशे केंले ते केलेच ! डॉली शेवट तांकां अशें सासणाचें सोडून गेल्लें –

केंसार वळखीचो मोगाळ हात भोंवतल्याची जाण येवन ताणे दोळे उकते केले. पैस पैस अटंग्या रानांत चलून येवन शांत जाल्ल्या मनाक कितलेशेंच तेवान शांती मेळिल्लेवरी दिसलें ताका. ताजो देवदत्तच आशिल्लो तो ! कामावेल्यान येतगीच नीनाक पळौंक आयिल्लो. – खरेंच ह्या दिसांनी कितलें वळमलां तोंड हाचें सामके आंवळून आयिल्लेवरी जाला, कितल्या तेपान अशे निवांतपणान पळेतां ताका आपुण ! कनले दाट काळे केंस आशिल्ले देवदत्ताचे, आतां स्पष्ट टक्कल पडपाची चिन्नां दिसतात. ह्या चार पांच वर्सांनी भोगिल्ल्या त्रासांचे वळ ताजे सुखासीन कुडीचेर जळींमळीं पातळल्यात. नीनाक सामकें याण जाल्लेवरी जाचें. खरेंच कितलें पिशें हांव ! आपल्याच दुःखांच्या कट्टयांत चूर चूर जावन रावलें. आपल्या बरोबर घरांतल्या सगळ्यांक डॉली कितलें जाय आशिल्लें, सगळींच ताजेखातीर कितलें करतालीं. पूण आपुण स्वार्थीपणान आपणालेंच दुःख उबेत रावलें. मावशी आनी हेर सगळीं आपल्याक समजायतात तें फाल्स न्हंय. गेल्ल्याच्या नावान रडत रावन आशिल्ल्यांकडेन दुर्लक्ष करप ही आपलं मोठीच चूक !

मावशेन मोगान लागीं ओडीत आपल्याक समजायलें आनी तिज्या उतरांनो दुखावलेवरी जावन आपणें तिजे हात धुकलले – 'मावशे तूंय बी तांतलीच हेरांभशेन' आपली नदरेची भास समजून घेवन मावशेन म्हणीलें "पोरा फॅक्ट इज फॅक्ट ! कितलेंय कडू आसलें तरी सत् तें सत्. भास सोड, वास्तव्याचें भान दवर. इतलें संसाराक कशें विसरलें – आपल्याक कितलेंय दुःख जाल्यार लेगीत दुसऱ्याच्या सुखाखातीर हांसतमुखान वावुरचें. तुमी कितें म्हातारी जांवक नात, काय तुमचें वय गेलां ? शिजता थंय करपाच ! ताका उपाय ना. पयलो दाव देवाचो म्हणचो आनी संसारपट परतून एकफावट पातलावचो. तुजें दुःख पळोवन सगळें घर कशें सांवट आयिल्लेवरी जालां पळय. तूं सुजाण आसा, शाणें आसा, सारको बरो विचार कर. मागीर हांव कितें म्हण्टा तें पटतलें तुका." खरेंच इतलें कशें अपुण स्वार्थी जाले. आपलेंच दुःख सांसपीत बमलें, हेरांक साध्प विसलें. पूण आतां अशें करप ना. आपलें वागणें सुधारून दाखोवप – घराद राक सुख दिवप. मनातले मनांत असो निश्चय करतगोच ताजें ताकाच खूब बरें दिसलें.

खरें तर देवदत्तान आपले बरोबरीन डॉलीच्यो खस्तो काडल्यात, जागरणां केल्यांत. घरच्यांनी सगळ्यांनीच हातूंत बरोबरीन बांटो घेतला फक्त णव म्हयने पोटांत बाळगीलें म्हणून म्हजें दुःख व्हड जायना. ताका कितें थोडें त्रास जायनात जातले. आमी बायलो रडून कुटून आपलें दुःख उक्तांवक शकतात. दादल्यांक सगळें भितलें भितर गिळचें पडटा ' नीना, आमचें डॉली देवाक जाय आसलें गो..' नीनाचो हात घट्ट धरीत देवदत्त ओठांतल्या ओठांत सुस्कारलो ! ताज्या त्या स्पर्शान ताज्या हुस्कार्‍यान ताजे काळजा गाबांतलें दुःख नीनाच्या मनाक जाणवलें " हय देवदत्त ही ताजी इच्छा ! देव करता ते बऱ्याक म्हणूंया. हालीं हालीं कितले त्रास जाताले ताका. देवानच सोडयलें पळय ताका तूं असो भितल्ले भितर फुगार जांवनाका. हांवच पिशें – इतलो तेप तुजें दुःख समजूंक शकलें ना. आतां अशें करचें ना, खरेंच – पयलो दाव देवाक सोडटात न्हय तशेंच समजूंया आनी आयच्यान नव्यान संवसाराक लागूंया." नीनाच्या ह्या नव्या अवतारान अजापभ रीत जाल्लो देवदत्त मोठे मोठे डोळ्यांनी ताजेकडे पळेत रावलो...

*With best compliments from :*

**Shri Janardan**
**R. S. Kudchadkar**
CURCHOREM - GOA




# कळसूत्री बावली

विजया रा. पै. धुंगट

रातची दोन वरां जाल्लीं. ट्रींग ट्रींग बॅल वाजली. सविता बेगी बेगीन उठलें. मॅक्सी सारकी केलो केसांचो आंबाडो घालीत दार उकतें केले.

" भाभी आज दोतोराक इश्टांनी पिवयलो. तांचो अन्याय ना." तांबडे गुंज कशे दोळे झेमेल्ले, आडखळत उलयत दोतोराचो इश्ट सोंपणा देंवलो. दोतोर लंवडत भीतर सरलो. सवितान ताका आधार दिलो. हातुणार गबच करून पडलो.

" कितें म्हणून पिवप ?" मनांत येवजीत सवितान ताजे बूट काडले. टाय सदळ केलो. बेबो कसो पडिल्लो. दोतोराक भान नासलें. लायट बंद करूंन सविता रांदचे कुडींत गेलें फ्रीजांतली बाटली काडली. इल्लें उदक तोंडाक लायलें, ताळ्या सकल इल्लें देवोवन तशेंच हातुणार वचून आडवें जालें. सविताचो दोळो लागलो ना.

" अशें हें कितलो तेप चलपाचें, शीम मेर कांयच ना." सविता आड पडिल्ले कडेन दोतोराच्या कर्तुपांचो नियाळ करतालें. दोन दोन दिसांनी पार्टी आसतालीच.

"चल या गो" उतरां कानांर पडटांच सविताक तयार जावचें पडटालें. मोटार गाडयेंतल्यान वतना दोतोर हेराच्या बायलांची तुस्त करतालो.

"नेहाक वळखता न्हय तूं, पळय कशें मॉर्डन जावन येतलें."

"म्हाका तशी संवयच ना." हांजेर दोतोर फ्यू फ्यू करुंन शिळोणी घालीत गीत म्हणटालो. ताका व्हडलें कांयच दिसना तें पळोवन सविता अळणीं तोंड करुंन वोगी रावतालें. आपयल्यार पार्टीक वचप ना जाल्यार घरा बसप. अशें कितलो तेपच चलिल्लें.

"कसलो हो सवंसार?" सविताची तकली जड जाली. एक न्हीदेची गुळी घेवन तें न्हीदचो यत्न करतालें.

परेश येतलो ह्या हुस्क्यान जागे रावप. उपरान्त न्हीदप. सुरवेक काय जेवनासतनाय रावलें. पूण जेन्ना कळ्ळें सगळें उमथ्या कळशार उदक सवितान जेवपाचें थारायलें. तरी न्हीद मात कशीच वाटावनाशिल्ली. दार काडूंक जाय. ह्याच एका हुस्क्यान सविताक जागरण करचेंच पडटालें. अशून ता दीस ताका याद जातालो.

परेशाचो वाट पळयत बशिल्ले कडेन ताका झेम लागिल्ली. "आगे, बॅल वाजता" मांयचो उतरां कानांर पडटकच सट्कन उठून सविता दाराकडेन पावलें दार काडलें मात मात तांबडे गुल्ल दोळे आनी रागान तांबडो जाल्लो घोरचो तो अवतार पळोवन ताज्या पोटांत गुळी जाल्ली. मान सकयल घालून चाकरावरी तें उबें रावलें.

"पांच पांच मिनटां भायर रावप. न्हीद म्हणून कसली."

"आगे चड न्हीद बरी न्हय, भिकेची भयण खंय ती. तो दोतोर मनीस, दोतोरीण बायलेक कांयच कळना कशें गे?"

"चलयांक दोतोरकी कोणे सांगल्या?" एम. बी. बी. एस. जाल्लें सविता कापपाक व्हेल्ले गाये भशेन तांच्या मुखार उबे आशिल्लें. त्या दिसाच्यान मांय मेल्या उपरान्तय घाल्लो नेम तें सतत पाळटालें.

मांयची उतरां आनी कॉलेजींतलीं आपलीं नाटकुलीं ताज्या दोळ्यांमुखार नाचूंक लागलीं सविता चौगुले कॉलेजींत शिकतालें. कॉलेजींत गॅदरींगाक सवितान दर वर्सा इनामां मेळयिल्लीं हुंडो, बायलांचे हक अशा जायत्या विशयांचेर परिसंवादातल्यान सवितान आपले विचार मांडिल्ले.

'कॅलेज क्वीन' म्हणून कितलेशेच चले ताजेर 'लट्टू' जाल्ले. कांय जाणांनी ताजे विचार आयकून ताजेकडेन लग्न जावपाक मागणी घाल्ली.

सविता पयल्या वर्गांत पास जालें आनी

---

'चित्रंगी' क उपाट यश आंवडेतां


# विवेक ट्रेडींग कॉर्पोरेशन

वर्दे वालावलीकार रस्तो
मडगांव - गोंय
फोन : २२०९५३

आवय बापायचें सपन पुराय जाल्लें.

"सविता तुवें दोतोरच जावंक जाय."

"इत्सा आसल्यार वचूं ताका, दोतोराक म्होव लागलां."

"हय, वय म्होवच लागलां. दोतोर जातकच, दोतोर घोव मेळटलो."

आवय, बापायचीं उतरां, संवाद सविता मोन्यानी आयकतालें

"आमच्या सविताक मेडिकलाक सीट मेळ्ळो." आवयन सगळ्या वाडचार पेरगांव घाल्लें. बापायक मात तश कांयच दिसनासलें.

"मात्सो हो डबो बांबोळे पावोवंक जाय."

"सांजचो पणजे वतलो हांव."

म्हयन्यातल्यान एक फावट सविता घरा येतालें. अभ्यास करपाक जाय म्हणून हॉस्टेलांतूच रावतालें. पूण आवयक मात सुख नासलें. दर शेनवाराक तीं खावंक दिवन धाडटालीं. दर आठवड्याक बापूय येता तें पळोवन ताका बरें दिसनाशिल्लें. पूण आवय बापायचें मन दुखोवंक ताका बरे दिसनाशिल्लें.

"म्हजें बाय दोतोर जातलें" ल्हानपणांतल्यान सविताच्या कानांर पडिल्लीं हीं उतरां ताका तोंड पाठ जाल्लीं. आवय स्वता सविताक जाय जाय तसले कपडे आनी कितें जाय तें आपूण आदींच हाडून दवरताली. सविताचेर कसलीच वस्तू मागची तिणें वेळच हाडची ना. खावप, जेवप, न्हीदप आनी अभ्यास होच ताजो नित्याचो कार्यक्रम. वेळापत्रकाच्या सांच्यात केन्ना बदल करपाचो वेळ आयलो ना. कळसुत्री बावली जावन सविताचे भुरगेपण पावलां मारूंक लागलें.

केन्नातरी ताका न्हीद लागली आनी सकाळीं कोणाच्या मोठ्या आवाजान ताका जाग आयली.

"च्या कर, चल उठ." दोळे चोळीत सविता बाथरूमांत गेलें. सकल वचून ताणें च्याचें केल्लें कप हाडलें. न्हीद अजूनय दोळ्यांरच आशिल्ली.

"दोतोरकी शिकलें बरें." रातभर जागरणां आनी वेल्यांन तोमणे. तरी दात ओंठ घट्ट दाबून सविता ओगी. ल्हान चल्याखातीर दर दिसा जागरण तातूंत आतच्या पयल्यान ह्यो पार्टी – दोतोर जाल्ली चली दोतोराच्याच हातांतली कळसुत्री बावली जाल्लें.

"च्या जाल्या" म्हणपाची फुर्सत नाशिल्ली. मेजार च्या सगळें तयार दवरचें पडटालें. च्या पिता म्हणसर न्हावपाक तुवालो कपडे धरूंन सगळें वेवस्तीत दवरलां काय तें सविताक करचें भाग जाल्लें.

टाय, पॅट, शर्ट फेर्रं मारून दवरिल्ले आसले तरी तें सवितान पर्थून पळोवन हातांत दिवपाचो कायदो आशिल्लो:- भायर सरून वतना 'एक कॉफी' दोतोराक जायच आशिल्लो.

*With Best Wishes from :*

GAVANDALKAR BROS.

CLOTH Merchants

Shop No. 3, Municipal Market,
Mapusa - Goa

मदींच रडटल्या चल्याक पळयत चाकराचेर नदर दवरतां दवरतां सविताक सगळो कामाचो भार आपल्या माथ्यार घेतले बगर दुसरी वाटच नाशिल्ली. दोळे आसून कुड्डे, कान आसून भेड्डें शिकून लेगींत डिग्री पोथयेक गुटलावन खुटचाळाक हुमकळावन दवरले बगर सुटका नाशिल्ली.

बंगल्याचे सोबीत कुडींत बशिल्ले कडेन सविताक चुटमूटे पडटाले. 'दोतोरकी चलोवपाचो ताणें घेतिल्लो सोपूत.' दोळे भरून आयले. एक सीट फुकट गेलो. "म्हजे सुवातेर दुसऱ्या कोणाकूय सीट मेळिल्लो जाल्यार?" नंदन, ताका याद जाली. एका टक्यान फाटीं आशिल्लो.

"हांवें दोतोर जावन कितें मेळयलें?" दोतोरकी पास जातांच ताजें परेशाकडेन लग्न जालें.

"मागणी आयल्या, म्हजे सविताक मागलां." आवय नाचली. बापायक मात राग आयलो ताणें सविताचें मत विचारलें.

"सविताक कांयच विचारपाची गरज ना सुमनान म्हाका सगळें सांगलां." दोतोर मेळटा तो हातचो कोण सोडटलो. बरो सर्जन, कचकचीत नश्शे काडटा. आवय सवितान सांगचे आदींच 'हां' म्हणून मेकळी जाली.

आवयन सगळी अर्थ अपुरबाय केली. चलयेक भांगरान भल्ली. दिवपाक म्हणून कांयच कमी दवरलें ना चलयेचें लग्न मोटचा थाटा माटान थाक्या माक्यानी केलें हार्मोनिया क्लबांत पार्टी दिली.

लग्ना उपरान्त विमानाच्यो तिकेटी हातात पडल्यो. "चली दोतोर जाल्या, चलयेक घोव दोतोर मेळ्ळा." आवयचे हावेस आवयन पूर्ण केल्ले.

आवयच्या घरा पावल घालतना बापायक लागून नाटकां सतिनी वांटो घेवंक मेळिल्लो. पूण घोवागेर पावतांच रुपडें रंगोवप बंद जालें. वता थंय गाडयेन वचप, येवप. पावंक हाडूंक ड्रायव्हर आसतालो. दोतोराक बायले वरोवर भोवंक वेळच नाशिल्लो.

एका मशीनावरी सविता चलतालें, खातालें, जेवतालें पूण एखाद्री बावली कशी मांय, घोवाच्या हातांत दोरी आनी दोगांय दोरी कशी नाचयतात तशें सयिता नाचतालें. सभ्यतायेचें रुपडे "कशी आसा?" आसा वरी शांत, सौम्य उतरां पाकळेवरी हालपो ओंठ, तातूंतल्यान सुटिल्ले सूर.

पार्टीक घोवा बरोबर वचपाचें. सांजचें मांयची सेवा तिजे बरोबर बाजारांत गेले पर्थून घरा. ते भायर खंयच भोंवप ना. मांयच्या बरोबरीच्या लोकांगेरूच वचपाचें. चलो जालो आनी बंधनात अडकलें.

आषाढ फुलां, पासडी कितें कितें चल्लें. तातूंत रोहन जल्मलो केन्ना तेंच सविताक कळ्ळें ना. आनंदातल्यान बंगल्यात अडकलें. झाडार मारिल्लो फातोर जसो वयरच झिरकून उरता, सविता पूर्णपणान बंगल्यातच उरलें. इश्ट, मित्र, कार्याबळी, व्याख्यानां सविताक रुचेच नाशिल्ली.

"चाकर आ ले तरी आपले कर्तव्य म्हणून." मांयचो उतरां, आवय बापायचो आदर, घराण्याचें नांव आनी तातूत सगळ्यांत व्हड . . .


*With Best Compliments From :*

**Modern Bakery & Store**

Makers of Bakery
&
Confectionary Goods
Shop No. 8, Keni's Hotel,
18th June Road, Panaji-Goa.

"सविता नगरपालिका हॉलांत बायलांची चळवळ. व्याख्यान येता मगो ?"

"ना म्हाका येवंक जमचें ना."

"रोहन व्हान आसा. घरांतलें म्हाकाच पळोवचें पडटा."

"जालें तूं येन्नाच जाणटेली."

"तशें न्हय दिसता आसतना कशें सोडून येवूं ?"

"नाका मागीर माय रागार जातली, घोव फुगार जातलो"

"व्याख्यानांक वचप तांच्या स्टेटसाक सोबना."

"बंगल्याच्या फरशींत तोंड पळयत वस. गोरी कात, लकलकीत म्हाळ, सविता दोतोरकी शिकिल्ले चली मगो तूं ?"

'कांयच उपकारना, म्हजें कांयच चलना."

"फकत एक सपन, यर्थार्थ तुका दोळ्या मुखारच दिसता." इश्टीणींनी ताजी वासपूस सोडली. चार वर्णटीं भीतर फुगार मार जावन सविता धुंवरांत जरी नासलें, तरी मांय आनी घोवाच्या विरूद्ध आवाज काडीनासतना तोंड धापून दीस सारतालें.

"लग्नाची किंमत मोल इतलें व्हड आसूं येता" पर्थून पर्थून एकच विचार मनांत येतालो.

"दोतोराची बायल." म्हणपाचो भोवमान. आपूणय दोतोरकी शिकिल्लें म्हणपाचेंय सविताक याद आशिल्ली काय कितें कांयच कळप कठीणच आशिल्लें.

"आमची घरची सून दोतोरकी चलोवची ना." प्रेक्टीस करपाक मुळांतूच बंदी घाल्ली. आवयचें उतर पूत कसो मोडटलो ? सुशिक्षित खोल्यांनी दुडू जोडपी परेशान सविताक सरळ म्हळें. "तुज्या पयशांची म्हाका गरज ना."

"चलयेक मनच ना, बायलेक स्वतंत्र विचार ना. लग्न जालें म्हणटकच कितें विचारय, मनां सयत विकते घेतलें ?" इश्टीणीचो उतरां सविताक पट्टाली पूण मांय आनी घोवा मुखार जाप काडपाची माणसूकी नासली.

लग्नाच्या बंधनात अडकल्या उपरान्त चक्रव्यूहांत अडकल्ल्या अर्जुनाच्या अभिमन्यूची अवतीकाय दिसतालो. भायर सरपाचो वाटच दिसनाशिल्ली. 'आवय' सविताचो हो संवसार पळोवन खोशयेन नाचताली. आपली चली बरें राज्य करता. पांयार पांय घालून जगता, नातू जाला, जावंय हजारांनी दुडू जोडटा ताज्यो थुळणां करपातच ती तोंड वाजयत आशिल्ली.

"म्हजो जांवय भांगर, सविताक चलून भोंवक दिना." आवय समाजांत येदे व्हड तोंड घेवन हांसत, मोटचा अभिमानान भोंवताली दोतोराचो 'माय' म्हणून मिरयतालो. तातूंत तिजो धन्यताय तिका जाणवताली.

एक दीस आमोरेचेर सविता कुळरा आयलें आनी बायायच्या तोंडातले उद्गार आयकून ताजे दोळे भरून आयले. "तुजे मन मारून, इतला, हावेस गोळाक लावंकूच हांव जापसालदार जालों."

"पप्पा तुमी बाईचे कित्याक आयकून घेतलें ?" इश्टीणीन म्हळे –

"कित्याक कितें वायट जालां म्हज्या

'चित्रंगी' क परवीं


## हॉटल माधवाश्रम

पणजी - गोंय

रावपाची आनी जेवपाची बरी व्यवस्था.

मुजरत भेट दियात.

सविताचें ?''

"मन मारून संवसार मगे आई.''

"पुरो पुरो हितीं शाणपणा म्हाका सांगू नाका तूं. तुजे भशेन हांगां थंय हेडूंक जाय आशिल्लें. ? लग्न जावन बरें घराब्यांत पावलें. नावाजतें कुटुंब तांचें. तुमचे भशेन कार्याविळीनी नाचतात तों बरी भुरगीं ? "

"आमी हेडटात, संवसार वाऱ्यार सोडला गे आमी ? "

"चली भुरग्यान दादल्यावरी भोंवप सोबना."

"बायलेनच संवसार सांबाळपाचो आसता. दादल्यांक कितें ?''

"बायल म्हळचार दाव्यार बांदिल्लें गोरूं, न्हय गे ?"

उलयतां उलयतां सवितायें मन इश्टीणीच्या उतरांनी भरून आयलें. अकस्मात बांद फुटचो तशं ताणें म्हळें, "म्हजें जिवित म्हळचार फकत एक कळसुत्री बावलो कशो."

"हय पूता आज दादल्या बरोबरीन शिकप घेयत पसून त्याच कोणांत लोळत दवरपाचेच हावेस अजून घरां घरांनी वास करतात. हेंच आमचें दुर्दैव."

"हातूंतल्यान सुटका ही बायलेक ना''

इतल्यांत भायल्यान मोटारीचो हॉर्न वाजलो. "दोतोर आयलो" म्हणून आवय धांवली. वतां, वतां तिणें म्हळें.

"पळय कसो कामांतल्यान लेगीत बायलेक व्हरूंक आयलो, आनी जाय तरी कितें करूंक ?"

दोतोराक घरांत भीतर सरूंक वेळ नाशिल्लो. सविता सरळ वचून गाडयेंत बसलें. सविता गेलें आनी घरांत चर्चा जालो. सविताचे गुण मातये भरवण जावन गेले म्हणून बापूय आनी सविताचे इश्टीणीचें उलोवप सुरू जाल्लेंच. ताका आनी वोतो आयलो.

"बंगल्याची राणी जाली खरी पूण ...'' इश्टीणीची उतरां आयकून आवयक तिडक माल्ली.

"चलयेक आनी कितें करपाचें आसता? बरो घोव मेळप हें नशीब. कांय एक फाल्त ना. एक हात धंयांत आनी दुसरो लोणयांत इतलें बरें घर मेळळें आसतनाय ... भांगरा सारको नातू जालो."

"तशें न्हय गे आतेबाय आमकां सवितायें वायट जाल्लें जाय ?''

"ना जाल्यार तुजे भशेन लग्न जायनासतना रावंक जाय आशिल्लें ?" आतेबायन थोमणो मारलो. ताजेर बापायक मनांक लागले. ताणें म्हळें

"ताजें लग्न थारलां पूण तुजे भशेन बांदून अंडून मात न्हय." सवितायें इश्टीण गेलो आनी चर्चेचेर पड्डो पडलो.

दर दिसायें हें घडप ल्हान सान घडणूको सवितायेच्या दोळचा मुखार उब्यो रावल्यो. "घोवाचे मूठींत बायल." शिकलें म्हणूनय तेंच. घरच्याच्या मनांप्रमाण वागना जाल्यार समाज कितें म्हणटलो ? आवय बापायक भोवमान मेळचो ना हाजो अणभव वता थंय येतालो.

"धाकटयाक हाडलो ना गो ?"

"ना" नटून थटून आयिल्लें सविता म्होंवाळ तोंडार हांसो हाडून उलयतालें. तोंडार

'चित्रंगी' क परबीं

**एजन्सी सातोस्कार**

माशेल - गोंय

आमचेकडेन मेळटात :

टि. वी. संच, शिवणेची मशीनां,

स्टीलच्यो आरमारी, मिक्सर,

कुकर आदि.

एकय मिरी दिसनासलो. एखाद्री सोबीत बावली बागेंत फुलां परमळांत हांसत पावलां मारीत घुंगरू वाजयत सुखांत आनंदान रमून गेल्या. आब्यांक भीतर कीड लागल्या कोणाकच खरें दिसना.

"पळय कशें सुखांत आसा."

"घोव दोतोर न्हय ?"

"दोतोरकी चलयना तर सविता ?"

"ताजी आनी गरज कितें आसा ? दोतोर जोडटा ती जोड नातरां पंटुरांक पूरो." लग्नाक आयिल्ल्या बायलांचे संवाद कानार पडटकच सविताचें आंग शिरशिरतालें आंगार कांटो उबो रावतालो.

"सगळें चकचकता तें भांगर न्हय" अशें मनांत येतालें.

सविता सोबीत बावली तकली ते पांयाची बोटां मेरेन भांगरान हळडुवेंच जाल्लेा सोबीत वाटकुळचा तिब्यांचो तांबडो शालू, पांचवो देग, गोरे गोमटे टवटवीत फूल, ओंठार हांसो, पाकळेवरी फुलिल्ले ओंठ आनी मूर्त सगमरमरी. पूण मोनी.

"आयतार बी लागतात मगो ?"

'हय व्रत, उपास आमच्या प्रतिष्ठीत घराण्यांनी अजून पसून सोडूंक ना गे.' आपल्याच प्रस्नाक जापो आपले मदल्योच बायलो दितात्यो. सविता हय, ना, ह्या उतरांनी मान हालयत मेकळें जातालें. घोवाचो मान, घरची प्रतिश्ठा आनी बायलो, समाज हातूंक मुद्दये थोक वागप आनी उलोवप

"लग्न, मूज, जांव कोणाचो वाढदीस थय वचून यता म्हणसर एक बंदनच" घरात पावल दवरतांच सविताक खोशा जाली. मातशे पांय मेकळे करचे अश दिसले. पूण मनातल्या घुस्मटमाराक वाट नाशिल्ली. मन रडटालें, फड-फडटालें, तिडकतालें.

हो समाज बायलेक अडकून वडयता. बावलेंशे करून खेळयता. कोणाकच बायलेचें मन वळखुवपाची तांक ना. तातूंन बायलो आनी दादले विचारूच नाका. कावळचावरी बोचावन मांसां काडटात पूण रगत आयलें, दु:खलें, झरकटलें म्हळचार पाप लागता." बिचाराचे तंद्रेंत हातुणार येवन बसताच ताका मांयची मूर्त दोळचा मुखार उबी रावली.

फणां काडून फोस करूंन आंगार आयिल्ले नागिणीची तिका याद जाली.

"सविता तुका दोतोरकी चलोवंक हांवें मना करुंक ना."

"कित्याक म्हळें तुमी."

ती ताईबाय म्हणटा "कितें गे सून दोतोर जाल्या पूण तिका घरांत बसयल्या. अजून विचार बदलूंक ना गे ?"

लग्ना कार्याक मांयक दुसरे बायलेन चौगांत बिचारतांच तिका शिट्ट जालें. घरांत दोन, तीन, चार दीस बोवाळ अशें तिणें म्हळेंच कित्याक ? हाजी जापसालदार सविताच्या माथ्यार फातर फोडले. दोतोर परेश कामतीन तर आनी दिचारू नाका. फकत बायलेक खीणा खीणाक पाडचें.

"जमतली गो एकट्याक दोतोरकी चलोवंक ? बायलो सुदारल्या, शिकल्यात पूण दादल्याच्या आदाराबगर फुडें पावल मारुंक जमना तातूंत दादल्याचो गुन्यांव ?"

---


सोबितकायेक भांगरान नटोवंक

**कावेरी ज्युवेलर्स**

रोज अपार्टमेंटस, दुकान नं. ५
फ्रांसिस लुइश गोमिश मार्ग
वास्को-द-गामा ४०३ ८०२

सविता ढोलक्यावरी जालें. मांय आनी घोव एके वटेन दुसरे वटेन समाज, आवय, बापूय प्रतिष्ठा. मुको मार सोसचो पडलो. कीण्णलें रगत काती भायर दिसना. भोतर मात सगळे आंगाचे कुडके दुखताले. त्या दिसा सांजवेळा घोवाच्या घरच्या लागसारच्यो इश्टींणी आयल्यो मांयन केन्ना कोणाक फोन केलो काय कशें कितें सांगलें सविताक खबर न्हय मागमूस लागलो ना बसलो. च्या, सरबत, टॉपकोला पिवन जातकच हांगच्यो थंयच्यो खबरी जाल्यो आनी तातूंत सविताचेर घणावरी घण बसूंक लागले.

"दादल्यांनी सगळें सोडलां म्हणून आमी सोडूंक फावता ?"

"बायल घुस्मट्टा खरी पूण कितें करतलो ?"

"एकदां माथें मारलें म्हणटकूच संवसार सोडूं येता गो ?"

"तशें करतल्यांनी घर दार नाका, वाऱ्यार भोंवतल्यांनो संवसार करुक फावना, लग्नच जांवक फावना." सविता मोने जावन बशिल्लें. दोतोराली एक बायल, दुसरी इंजिनीयराली, तर तीसरी सी. ए. जाल्या नावाजत्या घोवाच्यो बायलो. सविताक इंजेक्शनाचे डोज दिवंक आयिल्ल्यो. मांयन आयले घराणें आनी आपलो स्टेटस दाखोवंक हेर बायलो कितें करतात तें दाखोवंक तांकां आपयिल्ल्यो.

"वा थंय कातर. पयसो आसुन लेगीत मेकळीक ना." सविताचें मन अस्वस्थ जालें. उठून तें पर्थून सदांच्या कामांक लागलें. मांय गेली आनी थोमणे, खुटले, समाज, घरदार, प्रतिश्ठा, घराणें हांचेर व्याख्यानां बंद जालीं. पूण दोतोर परेश मात बायल म्हळचार फकत बावराडी समजताली.

सूट, बूट, टाय, गोरो-पीट्ट आकर्शक व्यक्तिमत्व. तोंडार हांसो, गर्वाचो पोटलो. आपले जोडीचो ताका मोटो अभिमान. आपूण शिकला सवरला. पूण बायलो म्हळचार तुच्छ लेखपाची मनांतली भावना. घरांतूय तोच अवतार.

"हाड गो, व्हर गो." अशें फर्मान सोडले म्हणून बंगल्याचो राजा राज्य करतालो. तातूंत पार्टीक वचून पिवन येवप हें ताजें मोठेपण ताका भांगरा पोवना हाडून दिल्ले वरी दिसतालें.

"आज लायन्स क्लबांत वता." सांगपाक पसून रीत नासताली. सांगपाक म्हणून सांगप. कांय फावट तर हो, तो, इश्ट दोतोराक पार्टी दिताले. उपरान्त फकत रातीच्यो राती फकत पिवप पूण दोतोराचो एक गूण ! ऑपरेशन आसता त्या दिसा दोतोर सोऱ्याक हात लाय नाशिल्लो. इतलें भायर भोंवप, मेळप, उलोवप चलतालें पूण दोतोर "बरो उच्च विचारांचो, बायलेक राणी कशी दवरला जातलो."

पार्टीक सविताय वतालें पूण उलोवप ना. प्रतिश्ठीतांच्यो बायलो शांत, सौम्य, सभ्य आसतात. चड उलयनात, सभ्यतायेचें हें लक्षण देख बायलेक मांयन दित साकून सविता उलोवपाक पसून कांचवेतालें.

घर दार, घोव, भुरगें, इश्टीणी, आवय बापूय गाडी घोडेकान्न जावन लेगीत सविताक दिसतालें, आपूणच न्हय, कितल्योशोच बायलो अशोच जगतात. तेंय खरेंच.

आयतार दिसा सविता लग्ना हॉलांत पावलें मात आदल्यो ताजे बरोबर शिकपी कितल्योशोच ताज्यो इश्टीणी ताका मेळळ्यो. चौगुले कॉलेजीतले दीस, तें गॅदरींग, नाच आनी कितें कितें याद जालें.

"कितें सविता तूंय आमचेच भशेन जालें मगो ?"

"हुंडो, बायलांचे हक शेळेले तूंय वगी मगो ?"

# SALGAOCARS

## Proud Of The Past - Poised For The Future

From a modest beginning three decades ago. Salagaocars have grown and diversified to encompass a wide range of activities - from Mining and Export of Iron ore to Shipping, Industrial Gases Chemicals, Engineering. Hotels and Travel.

Salgaocars - an organisation synonymous with the industrial growth of Goa.

**V. M. SALGAOCAR & BRO. LTD.**

Salgaocar House Vasco da Gama 403 802. Goa.

| Grams : | Phones | Telex : | Fax : |
|---|---|---|---|
| VIMSON | 512111 (4 lines) 513241 (3 lines) | (0) 91 211/265/301 | 91 0834 513813 |

*Offices at :*

**Bombay New Delhi Bangalore**

*With Best Wishes from*

## SRS ELECTRONICS

SHAPORA, P. O. VAGATOR
BARDEZ - GOA

**Service Consultants in Electronics**

' तुमी जगतात तशें तेंय जगता, एकटें कितें करतलें ?''

" घोव आनी संवसार, भुरगी " म्हणून सगळी हांसली.

" घोवाचें सुख, लंडन, अमेरिका ना जाल्यार काश्मिर, सिंगापूर भोंवपाक मेळप म्हळ्यार भाग्य मगो " रमाची फकांणां आयकून पर्यून सगळीं मोटया मोटयान हांसली. इश्टीणीच्यो खबरी आयकून सुखा-दुख्खा एकाच सारकी म्हणपाचें सविताक कळ्ळें. " चिमटे काडल्यार लेगीत रडूंक जायना हीच आमचे जीण " सवितान म्हळें.

" बायलांचे हक मागपी तूं आमचो फुडारी अशें म्हणटा ?"

" कितें करतलें तें, ताका म्हणटा तें तूं कितें करता ?"

" मांय आनी घरची अशा राटांत धुकळटात भायर सरुंक मेळना गो रोटा "

" सगळ्याचें दुखणें एकच, वखदय आसा, पूण..." इतल्यान रीटाचें मोटया मोटयान तावा तावान उलोवप मांयच्या कानांर गेले. तिणें पयसुल्यानच दोळे मोटे केले.

" ही पळय दोळे पळय तांबडे करता, भुरग्याक भिश्टावचें तशें म्हाका दटायता."

" फास्केच्या भायर वचत, पेंट, शर्ट घालत 'नारी शक्ति' म्हणत म्हणून तिका भंय दिसता गो."

" मांयपण कमी जावचें ना ?"

" बायलोच चड छळटात न्हय, गो ?"

" दादले कितें कमी थोडयाचें दिसता थोडयाचें दिसना." बडबड चालूच आशिल्ली.

" बडबडून बठाच कूडींतलो शक्ति सोंपोवपाक उलोवप, फाल्या उमथ्या कळशार उदक " इतल्यांत रीटान म्हळें

" मोटयान हांसनाकात प्रतिश्ठीतांच्या बांयलाक सोबना."

" शांत, हांसात पूण तोंडावेली मिरी हालूंक जायना."

सविता केदो वेळ सगळ्यांचे उलोवप आयकतालें. ताणें म्हळें, " संवसार सोडप ना गो, तशें पारपोळ म्हणपी म्हण्टलीच पूण सांगांत मांजराच्या गळ्यांत घंटा कोण बांदतलो ?"

उतरां आयकून सगळीं मोनी जालीं.

" धल्लें मौन व्रत ?"

" हेंच तें हांव सांगता तें, म्हाका फुडारी म्हणटात पूण हांवें पावल मारल्यार म्हजे बरोबर येवंक कोण तयार आसात ?" इश्टीणी उतरां आयकत आशिल्लीं.

कोणाचो घोव, कोणाची मांय, कोणाचो मांव दर एकटयान कितें तरी निमित्य लायलें. सवितान म्हळें

' म्हाका म्हजो घोव सुण्यापास्ट लेखता, एक मनीस म्हणून मनीसपणाचो वागणूक मेळना" हांवूय कांयच करूंक शकना.

" हय गो शिकून लेगीत कीडेच उल्ल्यांत आमी."

" कोणांतलें किडे बुचबुचपाचें आनी मरूंन वचपाचें." इतल्यांत इश्टाणीचो घोव, मांय, देर, म्हज्यांत उबे जाले आनी सविता धरूंन सगळीं दाव्यार वचून गोरूं उबें रावता तशीं उबो रावलीं. खिणाक सगळीं आप आपले गाडचेंत बसून लग्नकार्य सोपोवन मडगांवच्यान घरा पावलीं.

सविताक तर ह्या वेळापत्रकाचोच वीट आयिल्लो. रांद वाड उश्ठीं काड. शिकून सवरून अन्नाडी फुडार ना, बांयलांक प्रतिष्ठा ना, काय एक ना. फकत संवसाराचो गाडो माथ्यार मारूंन वोडीत व्हरूंन धन्यताय मानपाची.

बंगल्याच्या आयल्या मेकळचा वातावरणांत तणाचेर दवरिल्ल्या कदेलार बसून ताणें बंगल्याचेर नदर मारली. लॉन... मोव

*With Best Compliments from :*

# M/s. KUDCHADKAR ORE & CHEMICAL PVT. LTD.

**Manganese Ore/Dioxide**

CURCHOREM-GOA

तणाची काडो पळोवन ताका दिसलें.

"कडी लेगीत ल्हान आसून सुखांत आसा मेकळी आसा, बळगें आसा."

"मम्मा" स्वप्नील ताज्या म्हज्यात धांवत यतालो. इतल्यान बंगल्याच्या दारांतल्यान गाडो भोतर सरली. घडयाळीक कोर्द दितकच जशे कांटे आपोआप आपलें काम नकळत करुंक लागतात.

सविता आपसूक उठलें. स्वप्नीलाक "बाबा" म्हणून सरळ पावलां मारीत भितर गेले. घोव आयिल्लो दोतोर परेश कामत, ताका बायलेच्या हातांतलो 'च्या' जाय.

"एक कप च्या पसून वेळार मेळप कठीण, कितें करता गो, सविता रातदीस ?"

सवितान जाप काडली ना. पयशे घोवाक सांगून मोडप, घोवाली उतरां खावप, वेल्यान धोंग करून सगळ्याक उश्णो आव सांगप "भोंवडेर वचून आयलीं, भोंवली."

"हाणें म्हाका साडयो हाडल्यो, मोतयां, हाडलो."

म्हाका पवळीं हाडलीं मद्रासच्यान. भांगरान नटून भोंवप. मोन्या सवितान च्या दिली आनी स्वप्नीलाक उलो मारतां ताज्या मनांत आयलें 'कळसुत्री बावली, मांजराच्या गळ्यांत घांट कशी बांदतली ?"

*With Best Compliments from*

A. MONTEIRO & CO.

9. MAHALAXMI BLDG.
ST. INEZ, PANAJI - GOA.
Civil Contractor/Builders




# अप्रूप याद

ज्योती कुंकळकार

हात जोडून सिनारादेवीन मुखावेले कृष्णाचे मुर्तीक नमस्कार केलो. तितल्याच भक्तीभावान शेजारच्या खानसाहेबांच्या फोटोकूय हात जोडले आनी त्यो तंबोऱ्याच्यो तारो जुळोवपाक लागल्यो. कांय खीण अशेच गेले. उपरांत ताणी जड मनान तंबोरो सकयल दवरलो. आज तांचें मन लागना म्हणपाचें तबलजींक समजलेंना. ते तशेच तबल्याचेर बोटां दवरून वाट पळयताले. बाईच्या असामान्य गळ्यांतसून भायर पडपी स्वरांची तांकां संवय जाल्ली. तो आवाज ते आयकताले. तृप्ततायेन पूण परत-परत आयकुपाची उमळशिक लागताली. तांचो आवाज म्हळ्यार निखटो आवाज नासतालो, तें तर देवाचें देणें कशें ! तागेल्या तबलजीचें हें मत आसलें अशे न्हय, तर असंख्य रसिकांचें हेंच मत आसलें. फाटलीं पस्तीस वर्सां जालीं बाई गायतात. तांची पिरायूच आसतली चाळीस पंचेचाळीस वर्सां.

तबलजींचो तनरो मोडली तो बाईनीच "उस्ताद, आज तबियत बरी ना. फाल्यां पळोवया." तबलजींन अजापीत नदरेन बाईकडेन पळयलें हो उतरां ताणी केन्नाच आयकूंक

नासली. खानसाहेबाकडेन शादी जायतपासून ते बाईक पळयताले. त्या नाजूक आवाजाचेर खानसाहेब सुमाराभायली मेहनद घेताले आनी बाई मात उबगनासताना रियाज करताली. दांतार दांत आदळली थंडी आसूं वो घामाच्यो पावळचो गळोवपी गोम आसूं शिकवणी आनी रियाज केन्ना चुकलोना ! आनी आज ?

"बरें आसा बाई बाईजी." अशें म्हणत तें जडजावन उठलें सवकसायेन बाई उठल्यो. आनी आपल्या शयन गृहात गेल्यो. पलगाचेर पडल्यो. कालच्या पत्रान तांची मनशांती सामकी विस्कटून गेली.

म्हणजे पंचवीस वर्सां जालीं तरी पुरवल्ल्या त्या घामांची खिणां कायमचीं तशींच आसा म्हणपाचीं !

नगरच्या श्रीमंत बाळासाहेबानी बाईक आवर्जून निमंत्रण केलें. आपल्या वाडचार गाण्याची बैठक करपाखातीर. हें निमंत्रण बाईन स्वीकारचें म्हणून बाळासाहेबच्या इश्टांनी तांकां आगरो केलो ते येवन बाईक मेळ्ळे ताणी सांगले,

'बाळासायबा सारको दुसरो रसीक मनीस सोदून सांपडचो ना. तांच्या वाडचार खूप मान्यवर कलाकार येवन गेल्यात तांचो बेसबरो मान बाळासाहेबनी दवरला. तांचें निमंत्रण म्हळचार मोट - मोटचा कलाकारांक लेगीत पर्वणीच दिसता. तांचें मानधनय बरें आसता तुमची इत्सा आसल्यार तुमी तुमच्या मानधनाचो चडावत आंकडो तांकां कळोंव येता. तुमकां तो अधिकार आसा. बाळास यब मोटे खोशेन मान्य करतले. तुमचो विचार तुमी फाल्यां कळोवचो या आमंत्रणाचो स्वीकार केल्यार बाळासायब आनी ताचे इश्टमित्र धन्य जातले.'

... श्रीमंत बाळासाहेब, नगरचे संस्थानिक म्हणजे श्रीमंत नानासायबाचे चिरंजीव ! दुबावूच ना करचो काय आमंत्राणाचो स्वीकार ?

बाईक कांयच सुचनाशिल्लें, पूण मोहाचोच जय जालो. तोच मोह जाचेकडेन पंचवीस वर्सां फाटी फाट केली आनी सगळें जीवन बदलून वडयलें

.. श्रीमंत बाळासायबांच्या वाडचांत पावल दवरतांच बाईचें काळीज धडधडपाक लागले. "यो, यो बाईजी. हे वाटेन येयात. दिवाणखाण्यांत" अशें म्हणत खासा बाळासायबांनी तांचें स्वागत केलें.

दनपारच्या जेवणा उपरांत बाळासायबांनी बाईजीक तोच सगळो वाडो दाखयलो. जाचो कोनशान कोनसो बाईजोक वळखीचो आशिल्लो. देवाचे कुडींत प्रवेश केल्याबरोबर बाईनी पयसुल्ल्यानूच हात जोडले, कारण त्यो हिंदू नाशिल्ल्यो !

"हो आमची देवाची कूड. पिळगेन पिळगी हे देव आमच्या घरांत आसात. आमचे पणजे देवभक्त आशिल्ले.

.. "आरे, म्हाका हें सगळें खबर आसा. तूं कित्याक सांगता ? ह्याच देवाखातीर तुज्या पणजोबाक हांव सदां गंध जरोवन दिताली. ह्या देवघरांत तो कृष्णाची मूर्ती आशिल्ली तुकां खबर ना ते ती मूर्ती पळोवपाचो आसा तुकां ? आतां म्हजेकडेन आसा. अशें बाईक सांगन दिसलें. पूण त्यो वगीच रावल्यो आनी भूत काळांत रिगल्यो.

फातोड्च्या पारार वाडचार गायनाचे सूर आयकले आज कितल्या वर्सानी बाई त्या वास्तूंत गायताल्यो. त्या वास्तूंत ताणी गावचें न्हय. देखून नानासायबान जिवाचो कितलो आटो पिटो केल्लो. कारण तांचो बापूय श्रीमंत भाऊसायब ह्याच छंदान सामको बुडून गेल्लो. दिसरात गायन. गायना शिवाय तांच्या आयुष्यांत दुसरें कांयच नाशिल्लें आनी तांचे बायलेक दुकां गळोवपाशिवाय दुसरो मार्ग

*With Best Compliments from :*

**M/S. S. Y. KARAPURKAR**

PANJIM - GOA
The Home of Quality Foods

*With Best Compliments From :*

JOHN RAIKAR

**P. W. D. Contractor**
**& SARPANCH**

DAVORLIM-DICARPALE
SALCETE - GOA

नाशिल्लो. खासा आपल्या बापायक सुद्धां बदले ना. आनी शेवटा ह्याच गायनाखातीर घरदार सोडन गेले जाण्टचा काकासायबाक धक्को बसलो. ते कितलो तरी तेंप हातरूणाचेर उरले. तेन्ना ताची सेवा भाऊसायबाची चली म्हळ्यार काकासायबाची नात करताली. आपल्या आज्याचे देवघरांतलें सगळे पुजेची तयारी चली करताली. आपल्या आज्यासारकोच देवघरांतली ती कृष्णाची मूर्ती तिकाय प्रिय आसली. काकासायब वतकूच तो वाडो दुसरेफावट हाल्लो. जेन्ना भाऊसायबाचे कलेचें दायज घेवन आयिल्ले चलयेन गायन शिकपाचो हट धरलो.

भाऊसायबा फाटल्यान तांचो चिरंजीव नानासायब सगळो कारभार पळयताले. आपूण जितो आसामेरेन आपले भयणीक गायन शिकपाक दिवचो ना अशी ताणो प्रतिज्ञाच केल्ली. आनी ते आशिल्लेच तशे करारी ! आपलें तेंच खरें करपी. नातीक गायन शिकपाची परवानगो दितना काकासायबांक खूब वेदना जाल्यो. पूण तारा तांची एकटीच आनी सामकी अनुरबायेचो नात आशिल्ली. तिचें मन तांच्यानी मोडपाक जायना जालें.

आनी वाड्यार खानसायबांचो शिकवणी सुरू जाली. पुरे तयारेन गावपी आनी मन लाबन शिकोवपी त्या सुंदर आनी तरूण खानसायबान ताराचेर कसली जादू केली कोण जाणा !

अशेच एके मध्यानेर त्या वाड्यांतले एके कन्येन सगळो मोह, मायपाश सोडून वाड्या भायर पावल घातलें. लागीं आशिल्लो तो फकत आज्याचो देवघरांतलो तो कृष्ण हाडामासांच्या मनशांचो मोह तोडील्या ताराक त्या पाषाण मूर्तीचो मोह जालो.

खानसायबानी तांचेर खूप मेहनत घेवपाक सुरवात केली. अखंड परिश्रमा उपरांत त्यो तयार जाल्यो. तेन्ना खानसायबानी हि या सुरील्या जगांगली तेजस्वी सितारा जातली म्हणून तिका 'सितारा' हें नांव दिलें नाजाल्यार तारा केन्नाच सोंपिल्ली. जे निश्ठेन त्यो खानसायबाकडेन गायन शिकल्यो ते निश्ठेन तांणी खानसायबाक जिवीतभर सांगात केलो. तांका वचून स वर्सां जाल्ली.

"ताईसायब" बाई कांचवेल्यो. ह्या घरांत आपल्याक त्या पोरण्या नांवान कोण उलो मारता ? ताणी तंद्रो मोडपी त्या आवाजचे दिकेन पळयलें तर एक जाणटो मनीस तांचे मुखार उबो आशिल्लो, पिरायेन सत्तर-पंच्यात्तर वर्सां आसतलीं.

"कितें जाय तुमकां ?" बाईन विचारलें

"ताईसायब म्हाका वळखाक नाय ? हांव गोपी."

"गोपी हां हां गोपी तुमी वळखले म्हाका ?"

"तुमी न्याय, तूं तायसायब म्हाका चाकराक तुमो नाका म्हणूक आनी माज्या आंगार-खांदचावर खेळपी ताईसायबास्नी मी ओळखणार नाय ? किती बी वर्सांनी ओळखेन" कांय खोण थंडसाणेन गेले. परत गोपीनूच शांततायेचो भंग केलो.

"कश्यो भेटल्यो ताईसायब तुमी. इतक्या वर्सांनी तुमी गेल्या आनी वाड्याची शानच गेली बघा ! म्हाका तर लई आठवण यायची तुमची. बाळासायबाक लेगीत झालं, वयनी सायब आल्या. नान सायबानी बाळासायबाक सरळ सांगून टाकल्यान, गाण्यापायी हे समदं असं झालं. बाळासायब मोंट झाल तवापास्तन एक बो गानं कोणो या वाड्यांत म्हनलं नाय पन रगतातला गुन काय बो म्हना. बाळासायबाक गान्याचा लई शौक. नानासायबांच्या भ्यापायी गुमान गान्याचा अभ्यास करायचा. त्येच्या जिवाची काय तगमग व्हायची ! गान्याचे सूर कानावर पडले म्हंजे

चोरासारखा भायर जाऊन गानं ऐकायचा. नानासायब गेले आनी समदं खुलं झालं आतां वयनी सायबांच्या हातांत काय हाय ?

बाईनी सुस्कार सोडलो... ह ऽ ऽ सगळें अशें जालें तर... बाळासायबांचे गावपाचें पिशे हुमटून काडचे पयलींच नानासायब गेले. आनी म्हणून आपूण हांगा पावलीं. अश्यो बैठकी करपाक, आपल्याच घरांत. ना, ना. आपले ? ना आपलें कशें म्हणप ? तें तंद्रीतल्यना परत एकदां गोपीन तिका जागयली.

" ताईसायब आतां ऐका मांझं. बाळसायेबास्नी समद सांगून टाका. आनी हतंच रावा. त्या महालात तुमी एकटेच आसा नवह ? ह्ये बी तुमचंय घर हाय."

" नाका गोपी, ह्या घरांत हांव पंचवीस वर्सां आदींच मेलें. हें घर आतां म्हजें न्ही. त्या घरांत हांव परकी. परकीच म्हणून आयल्यां आनी परकीच म्हणून वतलीं. परत केन्नाच ना येवपाक नानासायबांच्या आत्म्याक तितलीच शांती लाबूं दी." विरक्तीच्या आवाजान बाईन सांगलें. गोपीचे दोळे मात दुकांनी भरून आयले.

'चित्रंगी' क आमचीं परबीं

# एक बरें मागपी

पणजी - गोंय

*With Best Compliments from*

# SUYOG INDUSTRIES

Manufacturers of Bicycles/Tricycles Spare Parts

D-4/1, Shristhal Industrial Estate
Shristhal,
Canacona - Goa.




# म्हजो बाबा

सुरेखा तोटेकार

तिनसांज जाली तशी राधा माथ्यार लाकडांचो भरो घेवन दोंगरावेल्यान धरा आयली. माथ्यावेलो भरो तिणें आंगणात वडयलो. चुंबळ काडून फापूडली. चुंबळ सोडोवन त्याच कपडयान तिणें घामशेंल्लें आंग पुसलें. आंगावेलो लाकडांचो तूस फापूडलो. तिचो पूत सगूण. ताका ती बाबाच म्हण्टाली तो खंय दिसना तें पळोवन तिणें उलो घालो ...

"बाबा ऽऽ अे बाबा"

घरांतल्यान जाप येवंक ना. सगूण केन्नाय तिका भेश्टावपाक दार धांपतालो आनी दाराफाटल्यान रावन भे ऽऽ क् करून तिका भिसडायतालो. आयजय तसोच रावला आसतलो. ल्हवू-ल्हवू पावलां वडयत ती भितर आयली. सगलें घरभर पळयलें. बाबा ना ... भायर येवन परत तिणें उले घातले. शेजाऱ्यागेर खंयय खेळपाक गेला आसतलो म्हणून तांगेर वचून वासपूस केली. खंयच ना.

इतलें म्हणसर काळोख जालो. राधेन शीत रांदलें आनी बाबाची वाट पळयत ती भायर येवन बसली. बाबा ना म्हणपाचें खुबशा जाणांक कळ्ळें. येतले-वतले बाबा आयलो गे? म्हणून विचारताले. पूण तोंडापुरतेच. राधेन जायतो वेळ वाट पळयली.

शेजारी-पाजारी जेवन न्हीदपाक लागले.

"ये ऽऽ काकी कोणाक राखता गे?" देवळाकडेन वचून फुलां विकपी यमूनान तिका विचारलें

"बाबा येवंक ना. तुका बी दिसला खंय

बाजारां ''

''ना गे काकी.''

तशीच उठून ती रानचे कुडींत वचून पेलोभर उदक पियेलां आनी हांतरुणार बसून रावली.

सकाळींच उठून ती तळयेर गेली. थंय तिका जनीबाय मेळ्ळी. तिका तिणें विचारलें.

''जनीबाय ! आमच्या बाबाक बी पळयला गो?''

''ना गे काकी'' तिणें कपडे उदकांत बुडयत म्हळ्ळें.

''कालच्यान तो ना जाला... सगळ्याक सोदलो.''

''म्हणजे गे ? असो अकस्मात ना जावपाक तो कितें ल्हान गे? धा-बारा वरसांचो जालो मगे तो. गेला आसतलो खंयय सोयऱ्यांगेर...''

''ना तसो तो म्हाका सांगिनास्तना खंयच वचचोना''

''खंय वचना गे तो येतलो. वोगीच अशी उचांबळ जांव नाका.''

''तुमकां बाये अशें म्हणपाक सोपें... म्हजो जीव रावता ?''

एक दीस असोच म्हजेवांगडा तळयेर आयलो. पेंवपाक येना... तळयेंत न्हय गे उडी घेतली. तरीय बरें हांव आशिल्ली म्हणून माणसुकी. वचकुलांक धरून सोमनोच वयर काडलो. असो हो आडांगी पोर ना

''सगलेकडेन पळयलो ?''

''हय...''

''सारको पळयलो ?''

''हय गो बाये हय.''

''तुजेकडेन झगडूंक बी ना मगे ?''

''ना.''

''जाल्यार येतलो ! चल तूं घरा. च्या बी पिये...''

''रातभर म्हाका न्हीद ना... आनी बाबानास्तना च्या म्हज्या एकटचाच्या ताळ्यासकल वता गो ? पूत म्हजो खंय आसा कोण जाणां...''

तळयेवेल्यान ती फाटीं परतली. येदो व्हडलो जालो पूण बाबाक तिणें केन्नाच दोळ्यांआड करूंक ना. सगूण मात तिका सांगिनास्तनाच केन्ना-केन्नाय घरांतल्यान भायर सरून वतालो. बापूय नाशिल्या तिच्या पुताक तिणें जिवापरस चड जपिल्लो.

तळयेवेल्यान ती कुळागरांत गेली. बांदार रावली. जायत्या जाणांकडेन चवकशी केली पूण सगूण कोणाकच कालच्यान दिसूंक नाशिल्लो. ती परत घरा आयली... घराचो कोनशान कोनसो आनी भितोडी तिणे परतून तपासलीं पूण फुकट.

येवजिता-येवजीतां तिका याद जाली. काल सकाळीं बाबा म्हण्टालो.

''आवय...पोटांत खूप दुखता गे...''

''केन्नाच्यान रे ?''

''सदांच दुखता गे. आवय ऽऽऽ आवय.''

राधेन बेगीबेगीन गांवठी वखद ताका सदचेभशेन केलें. पूण थांबलें ना. हाचे पयनीय अशेंच जायतेखेप ताव्या पोटांत दुखतालें. पूण आपशींच थामतालें. हे खेप कमी जायना देखून राधेन म्हटलें,

''बाबा. दोतोरागेर या रे ?''

''पयर गेल्लों गे. दोतोरान सांगलां मडगावां वचून फोटू काडपाक जाय.''

''खंय वचपाक जाय ?''

''व्हडले इस्पिशेंत.''

''फाल्यां या मरे?''

''तूं नाका आवय हांवच वतां. फोटू काडून पळयतां तरी पोटांत कोण आसा तो ?''

''हांव येता मरे वांगडा.''

''नाका गे. तुका पुरो जातलें. थंय मागीर म्हजो सोडून तुजोच फोटू काडचो पडटलो !...''

काल हांव दोंगरार वतकच थंय बी गेलोना मूं? राधेच्या मनांत दुबाव.

ती तशीच उठून कुडांत गेली. वण्टीक खिळ्याक लायिल्ली पोती तिणें काडली. काशोदांतलो नवो तुवालो काडलो. सोडलो. परत घडी केली आनी पोतयेंत भरलो. शोत-कडी रांदून ती डब्यांत भरून घेतली. न्हेशिल्लेंच पातळ तिणें सारकें केलें आनी आपल्या दोन कुडींच्या घराक कुलुप लावन तिणें रस्तो धरलो...

रस्त्यार तिका जायते लोक मेळ्ळे. पूण सगले अनवळखी. तिच्या मनांत परत-परत येतालें कोणाकय तरी विचारचें. तिच्या पुताक, बाबाक पळयला काय म्हणून, पूण विचारपाचें तिका धाडसच जालें ना.

तिणें मळबांत पळयत वाटेवेल्यान वचपी एका भुरग्याक विचारलें,

''बाब. वरां कितलीं जालीं रे ?''

''पावणे चार.

तो भुरगो चलतच रावलो राधेन कपलयवेली हुम पदराक पुसली. परत एकदां तिची नदर पोतयेंत गेली.

"आरे देवा !... पेलो आनी कुलेर घेवंक ना."

ती आपल्याभितरच पुटपुटली. चार पावलां फाटीं आयली.

"भोंगू तें परत घरा वचप"

तिणें येवजिलें. फुडल्या वोल्तार आवडूबायलें घर आसा. तांगेरच्यान घेवचें कुलेर आनी पेलो.

कशीबशी ती वोल्तार पावली. आवडूबायगेर वचून तिणें पेलो-कुलेर घेतलें आनी फाल्यां हाडून दितां अशें म्हणून ती फुडले वाटेक लागली. आवडूबाय घरा ना शेल्ली म्हणून बरें नाजाल्यार ती आनी चवकशी करपाची. खंय वता ? कित्याक वता ? कितें आनी कात.

राधेच्या मनांत हुस्कोच-हुस्को आशिलो. मन सामकें आकुळ-पिकुळ जावपाक लागिल्लें. मनांत ना-ना तरेचे विचार येवपाक लागिल्ले. वाट माडुयत ती चलताली. पूण वेळ वतालो तशे तिचे दोळे दुकांनी भरपाक लागले. इतल्यांत म्हज्यांत येवन एक सायकल उबी रावली. ... पळय जाल्यार तिचो देर ... ताणें बिचारलें ...

"काकी खय वता गे ?"

राधेन भरील्ल्या गळ्यान आनी दोळ्यांनी सांगलें

' बाबा, ... शेणलो."

तिचें दुःख तिका कशेंच आवरना जालें.

"बाबा ... तुवें बी पळयला रे खंय सगणाक ?"

"ना काकी ..."

"खंय वता म्हणून सांगून गेल्लो ?"

"तो बाबा दुयेंत. काल म्हणटालो. व्हडल्या इस्पीसेंत मडगांवा फोटू काडूंक जाय म्हणून. पूण वता भी म्हुण कांयच सांगू ना ... आनी किते ?"

तिणें दोळे पुसले.

"रडूं नाका काकी. येतलो तो."

"सांगपाक जाता रे कितेंय जालें जाल्यार ?"

"तशें कांय जायना गे. पूण काल भायर सरून गेला तेन्ना बरो आशिल्लो मगे ?"

"हय रे. बाबा तूं मात्सो पळयता रे वचून ?'

"आं... हां ... हांव. म्हाका घरा...वचपाक जाय मावोडेच्यान लोक येवपाचे आसात.'

ताणें कूस मारपाचें तयारेंत म्हळ्लें आनी सायकलीचीं पेदोलां मारीत तो गेलो लेगीत ,..

हे अशेच, खावपावेळार कावळे कशे आडुचो मारीत जमतात आनी आतां म्हजेर हें संकट आयलां जाल्यार. म्हजो बाबा खंय गेला देव जाणा... इस्पीसेंत आसा काय कोण जाणां.

राधा एकटीच गुणगुणत चलत रावली. कशीबशी ती फोडयां बसथाम्यार पावली.

"मडगांव, मडगांव, मडगांव." बसीचो कंडक्टर आडुतालो. राधा मडगांवचे बसींत चडली आनी हांतांतली पोती सांबाळीत सांबाळीत फाटल्यान वचून सिटार बसली. खूप. वेळान बस सुटली एकदांची. पयशे घेयत-घेयत कंडक्टर केन्ना तिच्या म्हज्यांत पावलो तिका कळ्ळेंच ना...

ये, आवय, तिकीट... तिकीट... कंडक्टरान मोडचे पयशे वाजयत म्हळें. राधेचो हात कमराक खोंयिल्ल्या बटव्याकडेन गेलो मात् ! तिका धस्स् जालें. राधा बटवो घराच विसरली,

"बाबा रे, बटवो घराच उरलो."

"हीं तीं नाटकां म्हाका करून दाखोवं नाका. हां... हांव सारको वळखतां तुमकां. बटवो घरा उरलो खंय!"

कंडक्टर तिचेर तापलो...

"ना रे पुता, खरेंच बटवो विसरली हांव !"

"तें म्हाका कांय लागना, ही बस तुज्या बापायची गे ? फुकट वचपाक ? काय म्हाका सोर्त लागल्या गे ? पयशे काड बेगीन."

"खरेंच पयशे ना रे, तूंच पळय."

"पयशे ना जाल्यार देव सकयल."

ड्रायवराक बस थामोवपाक शेळोणी घालीत ताणें म्हळ्लें आनी राधेक देंवपाक तो फोर्सार करपाक लागलो. बसींतले हेर लोक राधेक आनी कंडक्टराकच पळयताले. बस थामली. राधा भियेली.

"देव पयनी सकल."

कंडक्टरान तिचेर धेंगसो घालो.

"बाबा रे, कालच्यान म्हजो पूत शेणला.

मडगावां इस्पिशेंत गेला. खरेंच रे वडाकडल्याचो सोपूत घेवन सांगतां म्हज्या पुताक सोदपाक हांव वयतां रे बाबा. म्हजो पूत मेळ्ळो जाल्यार तुका पोसो भरून नोटी दितां, पूण म्हाका सकल देवोंक नाका."

कंडक्टर धरून बसींतल्या कोणाकच मातय्

तिची काकळूत दिसली ना. ड्रायवरानय तिचेर धेंगशे घालप.क सुरवात केली.

हानाक धरुन तिका सकयल देंवयली आनी बस मडगांवचे दिकेन धांवडायली.

ते उरांत राधेन जायत्या बसींक हात दाखयलो पूण तिचे तें विस्कटीलले केंस, हांतातली पोती आनी न्हेशिल्लें पातळ पळोवन कोणेच तिका गाडींत घेतली ना. पूण पुताचो हुस्को तिची फाट सोडीनाशिल्लो. ती चलत रावली. पुरो जातकच रस्त्याकुशीक थोडो वेळ बसनाली आनी पुनावीरींच येवजिताली... मडगावां पावप क तिका सांची साडे स वरां जालीं...

सात-आठ वरसां पयनी ती एक-दोन खेप मडगावां आयिल्ली. आयचें मडगांव आनी तेन्नाचें मडगांव हातूंत, खूब फरक आशिल्लो. जायत्यो बिल्डींगो, गाडयो, दुकानां, लोक.. रस्त्यार चलप लेगीत कठीण ! ह्या बोवाळांत राधेक शेणील्यावरी दिसलें. तिणें लागींच्याच एका गाडयार वचून चवकशी केली,

"व्हडले इस्पिशेंत खंयच्यान वचप रे ?"

"हमको कोंकणी नहीं आती ! उधर जाके पुछो !" तो मनीस तिचेर खेंकसलो आनी एका झगझगीत दुकानावटेन ताणें बोट दाखयलें. थंय वचपाक राधा कचरली. ती चलत रावली... कशीबशी वासपूस करीत ती इस्पितळांत पावली.

नर्सी हेवटेन-तेवटेन धांवताल्यो. दोतोर वायटकारांक तपासताले... भुरगीं रड्टाली. थोडे सोंसना जावन आडुताले. राधेन इस्पितळाचो कोनश्यान कोनसो सोदलो. पूण तिका बाबा दिसलो ना. शेवटाक राव नज जावन तिणें एके नर्सीक विचारलें,

"हांगा म्हजो बाबा आयिल्लो ?"

नर्सीन तिका सारको वरी पळयली आनी विचारलें,

"कोण बाबा ? कोणाल्लो ?"

राधेक दिसलें तिका खबर आसतलीच. तिणें बेगीबेगीन सांगलें, . .

"म्हजो ... म्हजो बाबा. पूत म्हजो ..."

"ताचें नांव कितें गे ?"

"सगूण ! सगूण."

"कितें जाता ताका ?"

"पोटांत दुखता."

"केन्ना हांगा आयला ?"

"काल"

"राव हां. पळयतां.

राधा थंयच उकडयां बसली. चलून-चलून तिच्या दोनय पायांक गुळें आयिल्ले. थोडया वेळान नर्स एक व्हडली चोरडी घेवन आयली.

"सगूण म्हणून कोण ना गे हांगा .."

"आसतलो गो पूता, सारको पळय गो, म्हजो बाब आनी खंयच ना, उपकार जातले."

राधा आ ां मात सामकी निर्शेली.

"खरेंच ना गे. इल्पितळांत आशिल्यांचीं नावां हे चोपडेंत बरयतात. हातूंत काय ताचें नांव ना. तो घरा गेलो आसतलो."

"ना गो बाय. घरा ताका सगळयाक सोदलो."

"बाय गो ! मात्शें पळय गो,"

"हांगा ना म्हटल्यार कळना गे ? परत-परत त्रास दिता ती. म्हाका आनीक कामा आसात. हांगा आनीक जायते बाबा आसात. तांची सिर्वीस करपाक जाय, चल पळोवया मात्शी ..."

राधेचेर नर्सीन तापत म्हटलें. आनी राधेच्या दोळयांतली दुखां पळयनास्तना तुरू-तुरू करून ती भितर गेली.

राधेन भायर पळयलें, सगलेकडेन काळोख. आतां मात ती सामकी गळसणली .., तरी पूण परत तिणें एका दोतोराक विचारलें. ताणेंय तिका सगूण नावांचो कोणच ना म्हणून सांगले. आतां खंय ताका सोदचो ? कितें करचें ? तिका कांयच कळना जालें. काळखांतच कशी-बशी ती परत वसथाम्यार आयली, थंय तिका तिचोच शेजारी रामबाब मेळ्ळो.

"आगे, राधे ... येदे राती खंय गे ?"

"कितें सांगू रामबाब ... म्हजो पूत शेणला ..." राधेन पदराक दोळे पुसले. ...

"शेणलो म्हणजे गे ?"

कालच्यान घरा ना ... सगल्याक सोदलो पूण पत्तो ना मडगांवा इस्पिशेंत फोटू काडपाक वता म्हणून सांगिल्लें ...

"इस्पिशेंत पळयलो ..."

"हय बाबा ..."

"थंय ना ?"

"ना व्हय रे ... म्हजो बाबा खंय गेलो देव जाणा."

रामबाबाक पळोवन राधेक आपलें दुःख कशेंच

आवाज ना जालें. ती हो हो करून रडपाक लागली:

"हें पळय अशी रडूं नाका ... घरा वचून पळय ... घरा आसतलो तो. धीर सोडू नाका ..."

'घराकडच्यान आयल्या न्हय रे .. "

" नाजाल्यार अशें कर. फोण्या पोलीसांक वचून सांग. तुजो पुत रोकडोच मेळटलो."

राधेकय ताचें खरें दिसलें. रांमबाबवांगडा ती फोण्या आयली. बसींत तिकीट ताणेंच काडली. सगलेवाटेक पुताच्या हूसक्यानें राधेचे डोळे परत - परत भरून येताले.

फोण्या पावतकच बसींतल्यान देवन ती पुलीस स्टेशनाचेर गेली. पुलीसांक तिणें सगलो फाक्त सांगलो. पुलीसांनी तिका सांगलें, तुज्या पुताक आमी वेगीन सोदून दितात. आतां तूं घरा वच. ताच्या उतरांनी राधेक मात्सो धीर आयलो पूण हुस्को कमी जालो ना.

काळखांतच वाट माडुयत ती घरा आयली. जशी जशी ती घरालागीं पावली तशी तिका घरामुखावेल्या सोंप्यार कोणतरी कुरंगुटी करून न्हींदला म्हणपाचें जाणवलें. लागीं येवन पळय जाल्यार तिचो बाबा ... तिका सर्ग मेळील्ल्यावरीं खोस जाली.

" म्हजो बाबा तो. म्हजो बाबा तो." अशें म्हणत हातांतली पोती थंयच आपटीत तिणें बाबाक घट्ट वेंतं घेतलो.


*With Best Compliments From :*

LAURENCO CARVALHO

CIVIL CONTRACTOR

DAVORLIM - DICARPLE

SALCETE - GOA

# साळग्राम

श्रीवतां सुशीला टी भट, कोच्ची - २

पोस्ट मान बर्पां घेवन आयलो. ताणे व्होड्डान उळदून सांगलें. "शेटणी पुतालें बरपा आयल्यां. कवर जडच आसा, ड्राफ्ट अनीक आसुयात. रजिस्टर तां. एक हस्ताक्षर करून दी." एक पाय मोडून आसिल्ले कदेलांत न्हीदेवन आसिल्ले गोपाल शेटीक पोस्टमानान जागयलो, अनीक हस्ताक्षर काडून घेवन बरपा दिलें. "पुत्तान दुड्ड तां धाडून दिल्याय जाल्यार म्हाकाय विसरूक नाज्ज वो. मिगेलेय प्रार्थनेचे फलान तां राजाक दुबायांत काम मेळ्ळचां. कळ्ळें व्हे ?" हें सांगून तो हसलो. राबिल्ले कडेच राबून मातें खरपूंक लागलो.

गोपाल शेठीन ताका जाप दिली. "नासर चोयतां कवरांत इत्ता म्हुण तरी ड्राफ्ट तांतु असा जल्यार फल्या तुका सन्तोषाक इत्तेंय दित्तोलोंच. त्या कार्यांत तूं कांय बेजार जावंनाक्का. अतां तूं वच वेगळकडेय बरपां दिवंचाक असाय न्हवे तुक्का?" जायत म्हुण सगून नासर गेलो. गोपाल शेटीन वायलेक उळदीली; ती वासरयांत रन्दप करून आसिल्ली. पुत्तालें बरपा आयल्यां म्हुण आयकिल्लेंय आयदनांय उड्कावन धावन फिदरांत आयली. ते भीतर शेटीन लक्कोटो

फाळन बरपा भायर काडलें. पत्राचे लार्गे. बार हजार रूपयांचे ड्राफ्टय आसिल्लें. ड्राफ्टावेलो संख्या देखून विश्वास एवनात्तिल्यान शंटो एक लागेन दोळे उरकूब चोयलो व्हय बारा सासूच. सन्तोषानय अद्मुतानय कर्तना तागेले ताळ्यांत गद् गद आयलें; दोळ्यांत उदाक आयलें. "बरपावेलो विशेष इन्ते म्हुण एक वाचून सांगाय म्हणे वेगीं" अशी विचारलेले बयलेले खन्दांक धरून ह.लोवन ताणेसांगलें –"रमा... अमगेले पुत्तान इच्चोय बार सासु रूपयांचे ड्राफ्ट धाडून दिल्यां. चोय चोय.. एक दोन दुड्ड न्हय.. पूरा वार सास रुपया देवा.. मिगेले चेरडाक खंय तो असा जाल्यारीय राक तूं."

अवसूकय होड आनन्द जालो की पुत्तान दुबयांत पाविल्ले उपरान्ते, प्रथम जाव्न बार सास रूपया धाडून दिल्ला दिकून उतलीच व्होड एक संख्या ताणी प्रतीक्षा केलेली न्हय. कामा खातिर पूत्तान दुबायांत वचून चार मास जाल्याय. थंगा पाव्न जालेल्या दुसरे मासात तां तांगेलें काम सम्च जालेलें. राबूक क्वारटरस यात्रेक बाहन सग मेळ्तलें म्हुण ताणे बरयिल्लें. कामार चढून जाले नत्तरय ताणे दोन बरपां धाडलीं. एक पसार लागी घरकडे फोण करून उलयलो. तावळ ताणे सांगलें "अम्मां लागीच हांव एदे दुडवांचे ड्राफ्ट धाडून दित्तां. जाय जालेले तकीत चोवन खर्च कराय म्हुण." अधीक घडियांक उलोवचाक जायनय. जाल्यारीय आ.सूक संतोष जालो. पुत्तालो शद्ब, पुणीय आयकिलो न्हवें. एचंय आज तागेलें बरपय, ड्राफ्टय आयलां.

शेटीन बयलेक पुतालें बरपा सगळेंच वाचून आयकयलें. दवन धाडचे रुपयातलो अर्धु काडून बैकान्त रीणाक बन्दूक सांगल्यां. मागीर अज्जेली घाण घालेली भंगरा माळाय, ककणाय सोडोवन दिवंचाक सांगल्या. तें जाल्यार भयण्यांक, भावांक, अम्माक-बापाक, अज्जेक वस्त्रा काडून घेवचाक सांगल्यां. सर्वप्रथम जावन सांगका जालेलें ताणे मगीर बरयला. तें कितें म्हळ्ळ्यार सामान घेवचे अंगडींतलें रीण सगळेंच दीवन सारतर मात्र बाकी कायरीं केल्यार पूरोय म्हुण. पाप अंगडीकार कुट्टी. तागेलो पूत राजालो व्होड दोस्त. त्याच खातिर ताणे शेंटाक सामान उधार दिवप. "दुड्डु पुर्त्ते दवनात्तिल्लें अनीक तुमकां सामान दिवंचाक जावन्ना" म्हुण स्वयजातींतुले आंगडकारानी सांगिल्ले समयार कुट्टीन, शेटीक तागेले अंगडींत उळदीलो. अनीक सनच ताळ्यान शेटाले कान्नांत सागलें. "शेटी फाय लागेन तुमी मिगेले अंगडींत थाकुन ज य जालेलें सामान व्हराय. दुड्डु तुमचे हाथांत मेळ्ळेले तकीत दित्यार पूरो. फल्य तुमगेले पुत्ताक एक चांग काम मेळतरी तुमगेलें सर्व दुरितय ना जत्तलें न्हय व्हे?"

तशीं तां कुट्टीले अंगडीत थाकुन साधन काडून घेवंचाक आरांभील्लें. आज चार पांच वर्षां जालीं ताणे लागी थाकुन व्होरोवु धान्य, गोड, पेयनदार, तेल इत्यादीक अवश्य सामान सामान काडून घेत्ताय. व्हय ताका दोन सास रुपया लागी दिवंचे असा. प्रथम तें रीण दीवन पावंका. मागीर बाकी सगटय एक मनशान ताळो सुखल्ले वेळार दिल्लेले एक घोटु उदकाची स्मरणा केदणाय अस्सूका. मागीरीय पुत्तान जायतीं कायरीं बरपार बरयिल्लीं असाय अज्जेक जाय जालेलें तैल, आसव, पुड्डी सगटय समच घेवन दीवंका. बापान चांग एक डाक्टराक शहरांत वचून दिखुका; पोटा दूखी एवंचो कसली म्हुण निरीक्षण करोवंका, अम्मान अनोक उपवास वूणे करून इत्तेंय दोनीय वेळांचे पुणोय खावंचाक चोवंका, भावालागी चांग रुपान सिखून हाई क्लासार पास जवंचाक श्रम काडूक सांगका, भयणींगेलीं सोयरीके कायरीं पुत्तुमामा लागीं सांगून सोडका अशी जायतीं

कायमी लागी मास लागेन तो मासान मास पांच सास रुपया लेखान धाडून दित्तां म्हुणूय बरयल्यां.

बेकान्तूले रीणाक समच मोरून एवंका म्हुण ताणे प्रत्येक जावन बरायल्यां. दोन मास वत्तर, गीम्मार घराचें रिप्पयर करूंकय ताणे सांगल्यां वऊती येवन गलेलीं कवडां, माळचांचीं फळीं, मुगुळू सगटय चांग कोरोवंका म्हुणूय सग राजान बरयलेलें असा. अनीक क्रमान सगटय संभालूक जात्तलें म्हुण ताणे सांगल्यां.

बरपा सगळेंच वाचून आयकून जवंचाक राजाले अवसूक एक कायंत मात्र व्होड दुःख दिसलें. देवळांतले देवाक जावो, घरकडचे देवाक जावो, कांय पूजा, व्रत, निवेद्यू अशीकांय करूक मात्र ताणे बरयलें ना. "मिगेलो पूत देवाक मात्र विसरलो मू. देवा! तूं ताजेर क्षमा पांव तागेले बगेक हांव, ताणी आवसू तुजे लागी याचना करता."

जाल्यारोय तीणे बमणालागी सांगले "अयकाय हांव मिगलो एक आग्रह सांगतां. आमकां हंगूले दुड्ड आमगेले उपयोगाक कडचे फुडें, प्रथम जावन देवाक इत्तेय करका तशी तां हांवे मनांत संकल्पु केला. देवळांत एक उदयास्तमन पूजा अनीक मुळिकांचो पूजा आमगेले घरा देवांक सहस्रनाम पूजा अनीक निवेद एक सत्य नारायण पूजा. धा जाण चेरडूवांक अन्न दान" बयलेलें अवगणेचे लिस्ट आयकून शट हासलो. "जाबो. तुगेले खुशी तर्कात देवांक करूं अनीक त्या खातीर तुवे चढ उपास काड्का नक्काय." शेटीन बायले लागी सागलें. "राजाले बरपय दुड्डय आयिल्ली कायरीं हांव तुमगेले अम्मालागीय सांगता. मवडेक व्होड संतोष जातोलो अयकून. मोगाचो नत्तू न्हय व्हे?" रमा मायचे कुडांत गेली. अत्यावश्याक मात्र चमकूक तां अज्जेच्यान जाता. प्राय अश्यां लागी असा. म्हंतारप्राय


INVEST IN 14% FIXED DEPOSITS
OF
E D C

BE A PARTNER IN GOA'S INDUSTRIAL DEVELOPMENT

HIGHLIGHTS

1) 14% interest payable quarterly.
2) Monthly interest payable for deposits more than Rs. 50,000/-
3) Interest warrants posted in advance
4) Deposits accepted at EDC House and all branches of Canara Bank in Goa
5) Brokerage of 5% for deposits more than Rs 50. 000/-

FOR FURTHER DETAILS PLEASE CONTACT :

EDC

ECONOMIC DEVELOPMENT CORPORATOIN OF GOA
DAMAN & DIU LTD. EDC House
Dr. A. Borkar Road Panaji Goa
OR
ANY BRANCH OF CANARA BANK IN GOA

वेखदांतूच. जाल्यार उडगासाक .जावो उलोवंचाक अयकूक जावो कसलो वूणावु ना. दोळे मात्र चिके सम न्हय. मनशांगेलीं तोण्डां साय सी दिखूक पडताय. जाल्यार शद्द आयकून व्यक्तीक मनांत करूक जाता.

नत्तवालो बरपाचो, दुड्डु धाडिल्लो खबर आयकून अज्जेक व्होड आनन्द जालो. तिणे देवांक स्तुती सांगली. तिणे सुन्ने लागी सांगलें – "अगो रमा ! मिगेली कांकणां, माळा अनीक घाण सोडोवन हाडूक अमसोर काडू नक्काय. ताजाक अत्यावश्य आसिल्ली उतूलीं की कायरीं हगा करूक पडल्यांय. म्हाका तें घालनु, शिगारन् खंतंय वचाक असा ? ह्याच कुडांत पडूक न्हय व्हे ? आज ना जाल्यार फल्या मिगले जायें तुमकाच आसिल्ले न्हय व्हे ?" तें आयकून रमान जवाब दिली "तशो न्हय. अमकां उतूल-उतूले कष्ट, दरिद्र आयले जल्यारीय अमी तुमगेलें अंगार आसिल्लें जायें मात्र काडनय आसिल्लें. तुमगेले पुत्ताक तंतु चांग निर्बन्धु आसिल्लो तुमगेले मनशान मोगान तुमकां करोवन दिल्लेलें आभरण खंय तें म्हुण आयकिल्यां." "तुळसी ! हांवे अतां तुजे गोवंटेक, हाथांक घालचीं हीं आभरणां तूवें मोरन जात्तर तां अंगावेलीं काडचात. मावीर अमका उतलोय वायट समय एत्ता जाल्यारीय तूवे हीं भूषणां मात्र अंगार थाकुन मेकळूक नज्जा. हो उगडास तुका केदणाय आसना" अशी सांगून खंय मू मांवान तुमकां तीं दिलेलीं. त्याच पसबत जायते अत्यावश्य एयल्यारीय अमी तुमगेलें तें जायें मात्र काडनय. जल्यार राजाक येळतडी वचाक पासपोर्ट सपकी कोरचे खातीर दुडबांक वेगळी खंची वाट ना दिकून मात्र ताजेर हाथ दवोरका जालो. इत्तें कोरयात ? मनीस एक लेकता देव अनियेक करता.

रीण नांक पशी चढून आसिल्ले वेळार कोण आमकां अनीकय रीण दिवंचाक ? बेंकांत जाल्यार रीण घेत्तल्याचो घांतूलो एक वंटो सरो तीन वर्षां जावनूय भरूंक जालेना. सिखवण जावन तीन वर्षां जावनूय हंगा जन्म देशांत चांग एक उद्याग मेळनय दिखून न्हय व्हे राजाक वेगळे राज्याक वच्चुका जालें. पपियान उतूलें सादीलें ? उतूलीं अप्लिकेशन धाडली ? उतूल स्थलांरी इंटरव्यूक गेलो ? कांय प्रयोजन मेळ्ळो व्हे ? देवान तागले वोख वरयल्याय दुबायांत हां... कशीय जावो. तागले त्या आलबरट नावांच्या खारयां चेडचान सहाय केलो दिखून हें काम अत्तां पुणीय मेळळें इत्तें करूंक ? कपलांत बरयेलें सर्वय भोगूनूय न्हय व्हे सोडवाट ?"

अज्जेन उडगास केला –"रमा रन्दप सग व्हे ? गोता अतां जेवंचाक पवंतली मू." तावळो तां रमाक स्थल कालाचो बोधु जाला. ती वसरयांत धावली. अतां तिगेलो म्हलगडी धूव एक बरार जेवंचाक पावंतली. लागीचे एक 'अंगनवाडींत' आया जावन ती काम करता. प्रतिमा तिका देडशें रूपया तां वेतन जावन मेळता. जाल्यारीय 'लासल्ले घराक ताण्डिल्ले वासे' म्हणचे गदीच कुटुंबाचे खर्चाक तिजान जवंचो सहाय ती करता. सग पशी कांय काम नास्तिलें नुतोच बसचे पशी चांगय न्हय व्हे ? वेगळे काम करचे बगेक पुरश तिका सिखवणय चढी ना, प्राय अठावीसां लागीय. राजा पशी म्हलगडी भयणी तो.

राजाली धाकली भयणी सीता शहरांतले एक 'लक्की स्टोर' म्हळळेले स्थापनांत टाइपिस्ट जावन काम करता. तिका मेळचे दुडवानां जावका घराचीं कायरीं मुखार वचाक तिणे लागींचो भाव कोळेजांत डिग्रीचे अन्तीम वर्षाक सिकता. राजाक इंजनियर कोरचेखातीर शेर्ट न भोव कष्ट भोगीले. जायतें रीण घेत्तलें, शेतां कुटके विक्कीले, अवसूलें आसिल्लें जायें

सगटय विकूका जालें. खंय थाकून कस कसल तगचें रीण काडूक जत्ता की तें सग काडलें. त्याच खातिर चोलियांक कोळजांत बळोवंचाक जायनय पाप. सीता सिखूक चांग दष्टीक आसिल्ली म्हळळचार खर्च करूक कांय वाट ना जाली राजालीच सिक्षवण पूर्ती करूक जायत व्हे म्हुण आशंका जाली. तितूल कष्ट जाले, दुडवांक साय-सहाय करूंक निजाचीं कोण ना जाली. चांग मार्क घेवन पास जाव्नूय घेवन ताका चांग एक काम मेळूकय ना जालें. जाल्यारोय तो सुस्त जावन बसलोना. ट्यूशन काडून, पारलल कोळेजांत सिखोवन सग तो चार खोवळे करतालो. गावात कांय वाट ना जवंचाक दोस्त आलबरटाले सहायान ढो दुबायांत कामार चडलो.

"कळवे तुमी एक त्या किच्च भट मामाक दिखून एय्याय. लागीचे आयतारा तंका बेटेल अस्तोलो व्हे म्हुण जाण जायाय. घरा देवांक अर्चनय, सत्य नारायण पूजाय अमकां जायत उतूल वेगीं करूयां त्याच लेकान देवळांतली अवगणय" रमान फिदरांत येवन बमणालागी म्हळळें शेटीन तिका जाप दिली "रमा तुवें अशी ओमसोर काळळार जात्तलें व्हे ? राजान बरपार संगिले बेकान्त हें ड्राफ्ट व्होरान दुडड करून काडून घेवंचे असा ताजाक फुडे अमचे नावान एक एक्काऊंट आपण करचे असा. तूवें घर म्हळचार घारी जवंन्ना. सगटाक एक्केक रीती असा. शेटीन बयलेक सगून मनांत केलें. कोळेज सोडून रवी एवो आज जालेना जाल्यार फलय ताकाय घेवन बेकान्त वचूका." शेटीन सांगलें.

अन्नालीं बरपाची, ड्राफ्टाचीं कायरीं आयकून भावाक, भयणीक व्होड संतोष जालो. गीताकय खुशी असा जल्यारीय तिका संयमत पालन करूंक कळता. रवीन तागेले मनांतूली एकेक आशा अम्मा - बापा मुखार दवरली. डिग्री पास जाल्यार तोवय अन्ना लागी वेचून थंगा काम करतलो म्हणूकय तो विसरलोना. "अमकां खेळू, निंदा, परिहासु केलेले जनां मुखावेल्यान एक रणिये मदरीन म्हाका चमकून वचका" सीतालो आग्रह तां हो. जाल्यार गीतान चांग संगून तांका घरकरायलीं. कसले कार्याकय अहंकारू काडूक नाज्ज म्हुण गीतान भवंडाक समझायलें. दाम पनशाले हाथांत एवंचाकय, नष्ट जावंचाकय अधिक समय नाक्का म्हुण तांगेले कुटूम्बाचेच उदाहरणान भ.वण्डाक मनात केलें.

उतूलें की प्रतापबंत आसिल्लें शेटीन कुटुंब. गोपाल शेटीलो बापूस गांवचो व्होड कोयलूवे ब्यारेलो आसिल्लो. ब्यारांतूलो लाभ काडून शेतां, परमां, जागो, घरां, अगडचो, भंगार, आयदन पायदन सग संपादन केलें. गोष्टी भरी गायो. नौकर - चाकर, दान - धर्म घराचे देवाक, साळग्रामाक नितय पूजा निवेदु. एक भटमामाक प्रतिभास वेतन दीवन पूजा चमकयतालीं खंय अज्जालो बपूस अनीक ताणे फूडेचीं म्हलगडीं स्वतः पूज करून तां एक्तालीं खंय. सकाळींच सात वरां फूडे देवाली पूजा जावन जाव्तरी खंय तीं ब्याराक वक्तालीं जाल्यार गोपाल शेटीले बापसूले कालाक पूजेक भटाक दवरलो. पूजा जावन जाल्यार खाण, जेवण जावन ता भटमाम परततालो. अन्नदानय तशीच जाल्यार हो प्रताप अधिक काळांत दीघु जावन राबलो ना. लक्ष्मी खंय स्थिर न्हय म्हूण सांगप असा. अज्जाले भावांनी ब्यारांत फटवण दाखोवंचाक शुरू केलें. अन्नां - भावां मदें झगडो आरांभीलो. हो सदर्मु स्थापनांतले कर्मचारीनं शोषण केलो. ब्यारू फुटलो. रीणार रीण आयलें. शेतां, जागे. जायें सग विकून रीणाक समाधान केली. ताजान मन मुरडून अज्जो मरण पावलो. जीवन काडूक प्रयास जवंचाक गोपाल शेट एक तेला मिलांत कामाक

गेलो. घराचे देवाली पूजा स्वयं करून येत्तालो. जाल्यार सात वर्षां फूडे तागेले उज्जो हाथ यंत्रांत पडून मनकटा खाल आसिल्लो भाग कातोरन गेलो.

त्या समयार राजा इंजिनियरींगाक परगावांत सिखता तां. राजा सिखूक अति बुधवंत. दाम-दुडु वूणे जाल्यारीय सिखूक दषटीक आसिल्ले चेरडाक सिखोवंका म्हुण गोपाल शेटीली आशा. राजाले मास्टरांनीयी सांगले, ताका सिखयाय म्हुण. अनीक त्या कुटुंबावेरी कोणे ब्यारू करूक तैयार जवंचाक नज्जा म्हुण गोपाल शेटीकय दिसलें. सर्वय देवाक अर्पण करून तां ताणे पुत्ताक सिखूक घालोलो. जाल्यार दुसेरे वर्षाच तागेली हाथाची दुर्घटना चमकीली. काम करूक, देवाक पूजा करूक ना जालें मागीर वर्षाक एक फन्ता नवरात्रींत मात्र देवाली पूजा चमकीली.

राजाक पूजेंत अनीक व्होड तात्पर्य ना जालें. " बपा म्हका काम मेळन दूर वचून राबका जालें जल्यार पूजा कोण करतलें ? तेंच न्हय म्हका पूजा विधी कळनान्हय वे अनीक सिखून काडूक प्रयास अस्तलो. जावो बापा. म्हाका काम मेळतरी आमकां दुसेरीच भट मामाक दवरून पूजा करोवूं." परीक्षा पास जावन घरल्याक ताणे राबचे कालाक सांगिल्ली मास ही.

रमाले आग्रहा लेकान देवळांत उदयास्तमन सेवेक, मुळिकां पूजेक दाम भरलो; पुन्नव तेदूस. तेदूसच घराचे देवाक पूजाय, संजे सत्यनारायण कोरूं म्हुण दवरलें. सत्यनारायण व्रत करोवंचे राजा गांवात येत्तरी पूरो म्हुण दवरलें. अत्तां अगत्य जावन आसिल्लें मात्र कोरयां; बन्धु बांधवाक उळदून करचें सत, सौकर्य चोवन कोरूय म्हुणूय दवरलें.

पुन्नव तेदूस गोपाल शेटीय धकूल पूत रवीथ मेळन देवळांत गेलीं. देवाक पांय पडलीं. पायस पूजेक संकल्पु रवी करूयान दीवयलो. प्रसादूय घेवन घरकडे ग्रायलीं. अनीक देनपारां पूजेक बार वरार देवळांत गेल्यार पूरो. गोपाल शेटीन रवी लागीं सांगलें "पुता तूं एक फंता लागेन अनवाळ्यान मत्यारी न्हावनु यो. एक ती व्होयरी उदार करून भितरी एक फकूण कोयरू पर घाली. देवालीं तों बिबां, विग्रहां, साळग्राम सगटय वोल्ले लुगटान पुस्सून वृत्ती करी. पूजे अ.यदनां, दिवल्यो हेंवय सग घसून दवोरका. तीनी विग्रहांचे गोवंटेक भंगराचे सोर असाय. तवेय काडून रिटो घालन घस्सून उतरांवका. सर्ण कायरीय हांव लागी बेसून तुका संगून दीन. बयलानी व्होयरेक अपडूक नज्जा म्हुण असा. ना जाल्यार हांव तुगेले अम्मा कग्यार सर्वय करयतलों आसिल्लों. तुका बाधा दिवंन्ना आसिल्लें. वुणव्व आसिल्ले-हाथाक मनकटना तिल्लो-हांवे चांगपण कशी करप? दावे हाथान करचें सम न्हय. वच पुता, न्हावन यो."

सीताय गीताय बेसून फुल्लां माळा गन्तिताय. सग कोग्न पन्नेरा पंचलोहा विग्रहा आसाय. गोवांत थाकुन प्रवासो जावन ह्या देशांत पविल्ले म्हलगड्यानी हाडिल्लो तां तो विग्रहां म्हुण तां विश्वास पवंताय. व्हय जावयात न्हय जावयात. महाविष्णू महादेवू, गणपती, श्रीराम-सीता, हनुमन्तु, नवदुर्गा अशी वत्रा विग्रहांचे लेक. तंतु प्रधान व्होड तीन बिंबाक भंगरा माळा असा. कुटुंवारी उतूल सभार कष्ट आयले जल्यारीय गोपाल शेटीन देवालें भंगार काडले ना तें नाच म्हुण लेकून तां दीस काडल्याय.

रवी न्हावनु पावलो. ताणे देवाले कुडीन्तुलें बळब जळयलें. व्होयरे कवड उद र केलें. कर कर...र...र... म्हळळेले शब्दान कवडां दूर सरलीं. भीतरचीं फळी शून्य. ताणे व्होड ताळयान बापाक उळदीली. "बापा एक धावन यो." बापा आयलो "इत्तें पुता इत्तें जालें ?

कांय चरत्रल्लो मी ?" "न्हय बापा हंगा बिंबा कांय दिखूक येनाक"–खायसोकान रवीन सांगलें. पुता चांग करून एक पळतां-पेळतांत खाल-ऊंच सग्ग एक चोय रे पुत्ता" बापान सांगलें, रवीन–चांग करून चोवन सांगलें. "ना बप्पा ना. हंगा चार सान साळग्राम मात्र दृष्टी पडताय. ते उतूले आसिल्ले ?" हें आयकून गोपाल शेटीक दोळ्यांत काळूक अयलो. तो मूंयचेर ढं जावन पडलो. शब्द आयकून रमाय धुव्वोय कूडीत धावन पावल्यो. देव दिखूक नाय म्हुण अयकूक अवसूनय बोब मारली. "देवा ! कोण की हे कर्म केल्यां जाल्यार तूच ताका शिक्षा दी. जाल्यारीय हंगा भीतर चढून फारूक कोण चोर तो ?" रमान उदवेगान निमगीलें.

"अम्मा-बापा एच्चय एक बरपा. अन्नून बरयिल्लें तां. एचय ह्या झल्लरेचा पोन्दाक थाकुन तां म्हका मेळळां." रवीन व्होडान सांगलें. हें अयकून गोपाल शेट मिमिडसेवन उठायलो "वाची रे पुता वाची. आयकतां." शेटीन रडून सी सांगलें. रवीन पत्र वाचीलें.

प्रिय बपसूक अवसूक,

हंगा ह्या व्होयरयांत प्रयोजन नात्तिल्लें दवोरन सोडिल्लीं बिबांय नीच भंगरा माळाय, चन्दाय आसिल्ले पांच साळग्रामय विक्कून तां हांवे दुबायांत वच्चाक आसिल्ले पास पोर्टाक, इतर आवश्यांक सग जावन पांतीस हजार रूपया तेयार केल्ला. म्हाका इतलोच रूपया दीवन सहाय करूक मिगेलो दोस्त आलबरट कुबेरू न्हय म्हुण तुमकां कळना व्हे ? तो अमचाक पाष्ट. काम घेवून दिवंचाक तागेले मामालो सहाय अमकां चांग रूपान मेळळो. तोच न्हय वे व्हड उपकार. गत्यन्तर ना दिकून मात्र हांवें हो अक्रमू केलो. अज्जेली कंकणा, माळा घाण घाल्यार कितूले दाम मेळूक ? हीं बिबा हंगा अमूनय व्होड उपकार असा म्हुण म्हाका दिसलें ना. आद्याक फाटी न्हय नव्हे चोवप ? पोट चोवन जात्तर फाटी देवान अमकां संदर्भु दिल्यार हाजाक चांग विग्रहां हांव काडून घेवन कूडींत दवरतलों. अत्तां ही विना वेगळी वाट ना. अनीक रीण काडूक कांय पुणीय हादी असा व्हे ? म्हाका गावांत जनांक तोण्ड दाखवंचाक लजा दिसूंक लागलें. सर्व जनालेंय प्रश्नू एकूच "तुका काम कांय अत्तांय जायनय ना व्हें?" हें अयकून म्हाका पूरो जालें. आत्महत्या पर्यान करूक दिसल्लें असा. कष्ट कालान न्हय वे म्हाका काम मेळळें ना आसिल्लें. भारी कष्ट काडून तां आलबरटान तागेले मामा करयान एक काम सम करयल्यां. पास पोरटाक दाम ना म्हुण सांगून तें चुकोवंचें सम न्हय. ही नन्तना वेगळी वाट ना. अब्बोंगेले उडगाला बगेक एदे साळग्राम मात्र हंगा सोडतां. अमगेले पूर्वीकानी, ह्या देवानी कांय मिजर कोप्पुन्ना. तुमीय कांय दुख पावंचाक नज्ज. अज्जेकय सांगून मनांत कराय. उतलेच काळ हीं बिबां ह्या व्होयरयांत बेसून अमकां कसलो लाभु मेळळो. तांका कांय पूजा, आरती करूंक नित्य-नियमित रूपान करूक अमकां जात्ता व्हे ? नित्य पूजा निवेद अनीक चमकुच्चे कडेच तां ही वत्ताय विदेशांत न्हय बिंबा देखूक ना जात्तर, कोणेय फारन व्हेलें म्हुण लेकून पोलीसांत अनीक रिपोर्ट करूक नज्जा म्हळळेले खातिर तां हें बरपा हतु बरोवन दवरल्यां. व्होयरी उदार करून बिबां सोदना फूडे मेळचे तकीत हें दवर्ल्यां. मिजरदेवू क्षमा करतलो म्हुण म्हाका चांग विश्वासु असा. तुमीय क्षमा पावंका म्हुण पायमूळांत पडून मागून घेत्तां."

अशी

तुमगेलो मोगाचो पूत

राजानन्द

वरपा वचून अयकून जात्तरी गोपाल शेटी सण्ण नीट जावन बेसलो, अनीक आलोचना करूक लागली. रमा देवाक बेसोवंचे सिंहासना मुखार कपाल धाडावन रडूक लागलो. गोन्दोळ आयकून चरत-चरत अज्जीय कूडी लागी पावलो. "सगटय तेयार जालेवें शेटी ?" हें निमगून भटमामूय घरांत चढलो.

*With Best Compliments*

# M/s McDOWELL & COMPANY LTD.

Bethora - Ponda
Goa




# पिसोळ्यांचें जग ...

सुमेधा कामत

एकेका वर्सा एकेका वर्गांतल्या विद्यार्थ्यांचें आनी तुमचें बरें जमून येता. तांच्या सांगातान तुमचींय वर्सां उडेदीन सरतात. जियेवपाचीय उमेद वाडटा. नाजाल्यार आसाच बरेबरच्या हेरांची रड. भुरगीं रडटात, घोव तापयता, चल्याक इंजिनियरिंगाक ॲडमिशन मेळना, चलयेक दोतोरूच व्हरो जाय, माळयेर दुसरो फिझर जाय... हें आनी ते परस ह्या पंदरा-सोळा वर्सांच्या भुरग्यांबरोबर दिसूयभर वावुरप, तांचेबरोबर हांसप, तांका शिकवप, तांका तापवप, तांची आपुर्बाय करप, ही कितली सुंदर गजाल. जिणेंत अशे सुंदर खीण खूप थोडे भोगूंक मेळटात.

खरें म्हळ्यार व्हानमणांत म्हाका टीचरूच जावपाची उमेद आसली; पूण चुकून पत्रकारितेंत पावलें आनी थंय सात वर्सां काडलीं. थंयचें रंगीबेरंगी जीवन पळयलें. लोक आपल्याक उप संपादक म्हण कोण तरी व्हड लेखतात अशें दिसूंक लागलें. आनी थंयच दसून रावचेशें दिसूंक लागलें. उपरांत एका अपघातान तीन म्हयन्यांखातीर एका कॉलेजांत शिकोवंक गेलें. थंयचें वातावरण म्हाका खुपच आवडलें.

भुरग्यांचें प्रेम जायजायशें दिसूंक लागलें. फुडें म्हाका टीचरची कायम नोकरी मेळपाची शक्यताय निर्माण जाली आनी हांवें उपसंपादकाची नोकरी सोडली. ज्या दिसा लोकांक कळ्ळें, हांव आता प्रेसांत काम करना म्हण (म्हणचे आतां तांचे कसलेंच काम म्हजे कडल्यान जांवचें ना म्हण) फाटलीं सात वर्सां ऑफिसांत येवन वा रस्त्यार, कार्यावळीनो वरांचीं वरां गोड गोड उलयत, चमचागिरी करपी हे लोक म्हाका पळोवन फाट फिरंवन वचूंक लागले. नवे नोकरेन चार-पांच म्हयने जातकीर संपादकान एक दीस म्हाका म्हळें, "आगो तुका मात्शी फुरसद आसा जाल्यार येवन बस थोडो वेळ प्रेसांत." म्हाकाय उमेद जाली प्रेसांतलें काम सात वर्सां करून एकदम टीचरीच्या बोअरींग पेशांत गेल्ल्यान म्हाका शिणील्ल्यावरी जाल्लें म्हण हांव सुटयेंत मदीं मदीं येवन उपसंपादकाचें कदेल तापोवंक लागले. परतूय बातम्यो, भाषांतरां, संपादन हातूंत शेणून वचूंक लागलें आनी एक मजा जाली. जे लोक पयलीं चमचागिरी करताले, मागीर फुडले स म्हयने फाट फिरोवन बताले ते परत प्रेसांत वयलेवयर मेळूंक लागले. म्हजी पोटली आजून हांगाच आसा, हें पळोवन तांकां अजाप जालें तांणी पृच्छा केली. "परत आयलें ?" हांवें म्हळें, "ना. संपादकान सांगलां, मदीं मदीं येवन बस म्हण." त्या लोकांनी साळसुदपणान धोरण बदललें आनी परत आशिल्ले तशे ते लोक गोड गोड उलोंवक लागले. पत्रकारितेच्या जगांतलीं तुमकां मेळपी ही गोड वागणूक तुमकां फकत सत्तेचें कदेल आसत जाल्यारूच मेळटा, या उघड आनी विदारक सत्याची जाणीव म्हाका त्या दिसा जाली. आनी हांवें टीचरीच्या पेशांत वचपाचो जो निर्णय घेतिल्लो तो सामको योग्य आशिल्लो हाची खात्री त्या वेळार पटली.

हांवें आठ वर्सां कॉलेजात शिकयलें, जळी, मळी, हाष्ठी, पाषाणी विद्यार्थी दिश्टी पडटात. आजो आनी माजी, खंयूय वच. खंयच्याय खांचो - गोंयंडचांनी वच, गोयांत भोव, गोयाभायर वच, "टीचर" म्हण उलो आयकूंक येता. मायेन भिजिल्लो, नम्र आवाज "टीचर तूं कशी आसा ?" (तांचो खबर पयलीं हांवें घेवपाचो, तें थंयच उरलें.) अमकें... तमकें... म्हाका दिसता विद्यार्थी टिचरीक आयूष्यभर विसरूंक शकनात हांव तरी म्हज्या टीचरांक खंय विसरलां ? प्रेम दिवचें, प्रेम घेंवचें !

हांव चडशें कोंकणीच शिकयता. म्हण्टकीर भुरगीं नव्वद टक्के किरिस्तांव तींय चडशीं मध्यम आनी निम्न आर्थिक स्तरांतलीं. (श्रीमंत किरिस्तांवांची भुरगी फ्रेंच वा पुर्तुगेज घेतात.) हीं भुरगीं अतिशय सादीं आनी प्रेमळ आसतात. वर्गासांतलीं श्रीमंत हिंदू बामणांची भुरगीं मात टीचरीक कितें कळटा ? या विचारसरणेचीं. 'शिकून वयर सरूंक जाय' या जिद्दीन पेटिल्लीं. हीं किरिस्तांव भुरगीं खुपूच बरीं. गळ्यांत, कानांत मिरसांगो घालून येतात. केंस लंब लंब वाडयतात, लिओनार्दो द व्हिन्सीबशेन केन्ना केन्ना कातर घेवन तांच्यो केश्टचो कातरच्यो अशें म्हाका दिसता. (म्हाका हांगा हे मानेर बोटभर केंस मानेर नाकाशें दिसता आनी हांका ते वाडयनशें दिसता. पसंद अपनी अपनी...) किरिस्तांव भुरग्यांक इगर्जीनी वचून वरांचे वरां पाद्रीचीं सेरमांवां आयकुचीं संवय आसता. इगर्जेंत हाल/धोलनास्तना ओग्गी बसचेली संवय आसता आनी मुख्य म्हणचे पाद्रीक मान दिवचेली संवय आसता. हीच संवय तांकां शाळा/कॉलेजातूय उपकरा पडटा. हांव कितें बडबडटा, तें कळूं नाजाल्यार न कळूं तीं ओग्गी बसून आयकतात. मातपसून त्रास दिनात. केन्नाय तांचे मांय - पाय येतात आनी "टिचर तुजें आयकना जाल्यार तेका बरो धाडाय" म्हण सांगतात. (पयर एका हिंदु स्टुडंटाची

आवय आयिल्ली. तिणे सूर काडून म्हाका विचारलें, तूं 'कामत' म्हणचे खंयचे ? मडकयचें काय कुंडयंचे काय .. तुगेल्या बापायचे नांव कितें ... म्हणचे देऊळमळार जे काकोडे आसा ताची भयण दिल्या ती तुमच्या घरांत ? हांवें कपलार हात मारलो. म्हणचे टोचरीचो धिंड घराघरांनी कशी काडटात हेंय म्हाका कळ्ळे .

किरिस्तांव भुरगीं टोचर रस्त्यार मेळ्यार एखाद्या पाद्री/माद्रीकडेन ज्या आदरान उलोवचें तशी उलयतात.

नाजाल्यार आमी ... देवळांनी उत्सवांक वचचें, किर्तनाक वचपाचें नाटक करचें, एकमेकांक धुकलचें, बारीक चिमटे काडचे, सारकें पळोंवक मेळना जाल्यार मुखार उबे आशिल्ल्यांचेर फातर मारप (पर्तगाळी रामनमीक रथाच्या वेळार हांवें हें सगळें अणभवलां.) देवळांनी खांबे सोदत सोदत फाटीं फ्राटीं सरन बसचें आनी जगावेल्यो खबरी बारीक आवाजान करीत बसचें, सगळीं धवळां मिरामारचे वेळेर बाकाचेर बसूंक जे हिंदू बामण आनी बामणांच्यो बायलो येतात थंयलेगीत हींच धवळां चलतात. हांचो भुरगीं आनी टीचरीक क्लासांत कसो मान दितलीं ?

एक किरिस्तांव भुरगो म्हाका चुकून पूण सद्दां "सिस्टर" म्हण उलो मारी म्हाका अजाप दिसं हांवें ताका विचारल्यार तो म्हाका म्हण आमच्या गांवांतले सिस्टरीबशेन तूं दिसता खय (हें जर म्हजे आवयन आयकल्लें जाल्यार ती नावेलेच्यान लाटणे घेवन ताचे फाटोक लागपाचो आनी ताची 'सिस्टर' भायर काडपाची !) ताणे म्हाका 'सिस्टर' म्हळें आनी हांव विचार करूंक लागलें. सिस्टर म्हळ्यार संन्यासधर्माचो स्वीकार केल्ली एक पवित्र, व्रतल्य बायल दोळ्यामुखार उबी रावता. 'संन्यासधर्म' मनशान संस्कृतिचो स्वीकार करतकीर युगानुयुगा ह्या सुंदर कल्पनेचो व्यक्तीच्या मनाक मोह पडला. ऐहिक जगाचीं सगळीं बंदनां तोडून उडोवन फकत परमात्म्याच्या आनी परमार्थाच्या विचारान लीन जावप

फाटीं हांव एक पावट पोन्ना गोयांत गेल्लें. थंय वयर दोंगरावटेन माद्रींचो एक कॉन्वेंट आसा. त्या कॉन्वेटाच्या दारांतल्या पाळणीतल्यान हांव दोंगरावेल्या कपेलाकडेन चलत वतालें. इतल्यान कॉवेंटाच्या भव्य, उकत्या दारांतल्यान अचकित म्हजी नदर भितर गेली. जाल्यार थंय एका हॉलांत सात्विक मुखामळाच्यो कितल्योशोच साध्वी सिस्टरी, आल्तारामुखार दीपरत्ना पेटोवन प्रभुचिंतनांत मग्न जाल्ल्यो. शीतळ संन्यासधर्म आंगभर पांघरून प्रभुच्या तेजोवलयांत विलीन जाल्यात. पावलांचो आवाज करिनास्तना थंय वचचें आनी तांचे म्हज्यांत थंड बसचें अशें म्हाका खिणभर दिसलें पूण कितें ? हांव अवचिन्न पोर तें म्हज्या मनांतलें क्षणिक वैराग्य दोनूच मिण्टांभीतर म्हाका चमचमीत वासाचे बटाटवडे खायनशे दिसतले आनी 'आ जा सनम, मधुर चांदनी में' गायत नाचनशें दिसतलें. तेन्ना ही संन्यासधर्माची कांटयाची वाट आमच्यासारक्या जन्मजन्मीच्या पातक्यांखातीर न्हय (आनी न्हयच) म्हण हांव ताकतिकेन फुडें गेलें आनी कपेलाच्या दारांत उबे रावन सकयल आयले पयस पातळिल्ली पांचवीचार शेतां, आनी चोडणा-दिवाडेची पांचूबशन पांचवे जुवे, मांडवीन घाल्ले नीलमण्यांचो हार घालून कशीं दिसतात तें पळोवंक लागलें. मदींच मांडवीच्या हारशांत बक्यांची मोतयांची माळ आपलेय रुप निरखूपाक म्हाका धुकलून भोंवर मारूंक लागली. आनी हांव म्हजेभितर शेणून गेलें.

म्हजो कोंकणीची भुरगीं हांव खंयूय दिश्टी पडल्यार म्हाका पळोवन लागीं येतात. पूण हांव एक वर्सा कंपलसरी मराठी शिकयतालें.

Made out of the Finest Materials

# MANGALORE GANESH BEEDIES

Smokers cannot afford to miss them

## DAILY SALES EXCEED 8 CRORE BEEDIES

Head Office :

**MANGALORE GANESH BEEDI WORKS**

VINOBA ROAD * MYSORE 570 00

Telephone : { 20241 / 27172

Telegrams : 'AROMA'

The Largest and the Oldest Urban Co operative Bank of Goa

## THE GOA URBAN CO-OPERATIVE BANK LTD.

(Regd. Off : Dr. Atmaram Borkar Road, Panaji Goa 403 001)

WISHES

Its Share-holders, Depositors and Constituents

*A VERY HAPPY DIWALI*

With Network of 15 Branches in Goa at

PANAJI, MARGAO, PONDA, CURCHOREM, VASCO DA GAMA ST. ESTEVAM, CAVELOSSIM, ASSOLNA, MAKET ST. INEZ) PANAJI, MALA (FONTAINHAS) PANAJI, NAGORCEM (CANACONA), PORVORIM, HEAD OFFICE (MAIN BUILDING) PANAJI, BAINA (VASCO), MAPUSA.

Financial Position as at 30 9/1994

(Rs. in Crores)

| | | | |
|---|---|---|---|
| SHARE CAPITAL .. | 3.27 | INVESTMENTS .. | 63.71 |
| RESERVE FUND & OTHER RESERVES .. | 11.85 | ADVANCES .. | 76.95 |
| DEPOSITS .. | 123.86 | WORKING CAPITAL .. | 155.02 |

NO. OF MEMBERS .. 70, 731 (Actual)

"We take Pride in being partners in the progress and prosperity of our constituents."

पूण त्या क्लासांतलीं भुरगीं म्हजेकडेन केन्नाच क्लासांत उलयलीं नात आनी भायरूय उलयलीं नात. वर्सभर ताणी डिफिकल्टीय विचारल्यो नात किद्याक ? तीं क्लासाभितर आनी भायर मेळटकीर हांव तांचेकडेन मराठींतल्यान उलयतालें आनी तांका म्हजेकडेन मराठी 'कातरूंक भय दिसतालो. रस्त्यार मराठीची हीं स्टुडंटां (अर्थात हिंदु) मेळलीं म्हण्टकीर हांव मोठे उमेदीन ताचेम्हत्यांत वतालें जाल्यार हीं भुरगीं रस्त्यार वाग दिसतकीर कडसरचें तशीं फाटीं फाटीं सरतालो. ह्या भुरयांक वर्सभर हांवें जीव तोडून इरावतीबाई आनी अनंत काणेकर शिकयलो. चवणुक्यांक मातपसून उपकार नात. हांवें म्हयन्याच्या म्हयन्याक पगार घेतलो म्हण कितें जालें ?) बेमान खंयचे कडलीं ?

'आतां मराठीच्या या कर्माला काय म्हणावे ?' हांव आनी बावडें कॉलेजांत म्हाका मराठींतल्यान उलोंवक मेळना म्हण हीं भुरगीं दिश्टीं पडलीं रे पडलीं, मराठींतल्यान उलोवन तोंडाची खाज भागयतालें पूण हांव दिश्टी पडटकीर पोरांच अदृश्य. (मराठीची ही उमेद अशे तरेन म्हाका म्हारग पडूंक लागली आनी हांव फुडें 'श्रावणमासी हर्ष मानसी हिरवळ दाटि चोहीकडे' म्हणत भोवच्या बदला 'त्या दिसा वडाकडेन गडद तिनसना' करीत भोवूंक लागलें )

त्या दिसा हांव क्लासांत शिकयतालें. सदचेवरो आरड्यो मारीत, उपरांत खरशेत खरशेत, निमाणं सोंशेत सोंशेत.. इतल्यान अचकित म्हजी नदर एका भुरग्याचेर गेली, हो भुरगो निमाणच्या बांकार बशिल्लो, तो मान सकयल घालून, पेन हातांत घेवन कागदाचेर कितें तरी काडटालो. मदींच वयर पळयतालो. परत पेनान किदें तरी.. हांव जें कितें बडबडटालें तें त्या दिसा, त्या वेळार तरी बरोवन घेववें अशें न.सलें. (बरोवन घेयात, अशें आमीच भुरग्यांक सांगचें पडटा ) हेर भुरगीं सुसेगादीन म्हज्या तोंडाकडेन पळयत म्हजें उलोवप आयकतालीं (काय जाणांचे दुसरेकडेन आसलें, पूण दोळे मात म्हजेकडेन दवरपाचो जतनाय तीं घेतालीं.) इतल्यान तो येदोळचो भुरगो रबर घेवन तें कितें तरी कागदावेलें खोडूंक लागलो – सो... हांव प्लॅट फॉर्मावेल्यान ल्हवूच देंवलें. पावलां वाजयनास्तना ताचे म्हत्यांत पावलें. ताचेसरी पावपाक म्हाका एक खोणपसून लागलो ना आनी ताच्या हातांतल्यान फर्रकरून तो कागद हांवें ओडून काडलो. तो भुरगो थर्थ भियेलो. थरथरत उबो रावलो. मान सकयल घालून काकुळटीन 'टीचर सॉरी' म्हणूंक लागलो.

कितें आसलें त्या कागदाचेर ? कितें करतालो तो पेन्सील आनी खोडरबर घेवन ? तो भुरगो हांव क्लासांत शिकयतना म्हजें चित्र काडटालो. (व्यंगचित्र न्हय आं, हरशीं म्हजें चित्रूच व्यंगचित्र कशें येत ती गजाल वेगळी! ) हांव तें पळोवन थंड जालें. म्हाका राग आयलो ना. (कसो यतलो ?) पूण रागाचें नाटक करूंकच जाय आसलें हांवें तें चित्र जप्त केलें. चित्रकाराक भरपूर तापयलो आनी हात पांय आपटीत परत प्लॅटफॉर्मार आयलें आनी झांकूंक लागलें.

खय चुकता आमचें ? चित्रकार जावप ची इत्सा आशिल्ल्या भुरग्याक बळजबरीन व्याकरण, भाषाशास्त्र हांच्यो कसरती करपाक शिकोवपाच्यो ? काय ताका तशा पद्धतिच्या शाळांनी घालून ताचे प्रतिभेचो आनी निमाण-कडेन ताच्या व्यक्तिसत्वाचो विकास साधपाचो? गरीब पालकांक काय गोष्टी शक्य जायनात. कबूल. पूण शिक्षणतज्ञांनी हातून लक्ष घालचें न्हय ? आमच्या अभ्यासक्रमाचो रचनाबंधूच बदलून उडोवंक जाय. भाषाशास्त्र-व्याकरण

हांचेवरोबर आर्टसाच्या हया भुरग्यांक खंय तरी तांच्या कलगुणांचो विकास करपाचीय संदूय हांगा मेळूंक जाय.

म्हाका याद जाता. यत्ता पांचवीपासून गणित नावाच्या एका भयानक राक्षसान एस. एस. सी. मेरेन म्हज्या शैक्षणिक आयुष्याचो सत्यानाश करून उडयलो. म्हाका पांचवेंनूय गणित येनासलें आनी आतांय तें येना. यत्ता पांचवी ते फुडें शंभरापैकी सात, आठ असले मार्कस पडटाले. ते तितले तरी कशे मेळटाले कोणाक खबर ! (काय टीचर कोंत करपाक चुकताले ?) फकत कालेजाक पावतकीर आतां तरी तें पाडडिल्लें गणित सुटलें म्हण हांव हुस्कार घेतलो.

आमकां जाय ते विषय अभ्यास क्रमांत आमकां केन्ना घेवंक मेळटले ? केन्ना हीं आमची अपुर्बायेची भुरगीं आपल्याक जाय तें, जाय तेन्ना शिकतली ? मेकळे हवेंत, सैमाच्या आलाशिऱ्यान सवण्यांची गायनां आयकत खंयच्या तरी काळांत कोण तरी एक युगपुरूष शांतिनिकेतन काडून गेलो. खूप थोडीं भुरगीं थंय पावूंक शकतली. पूण देशभर जळींमळीं शिपडिल्ल्या हया ज्ञानपिपासू कचांचे कितें ? काय ताणी फकत कठोर शिक्षक आनी कठीण अभ्यासक्रमाच्या राक्षस गुरुं-कडल्यान फकत गिळून घेवपाचें ? हया सगळया कवांक मुक्तताय मेळूंकच जाय विद्येची सिद्धी मेळोवन ताणी स्वर्गाचे दिकेन-आत्म्याचे उन्नयनाचे दिकेन पावलां मारूंक जाय.

म्हज्या पुस्तकांत त्या भुरग्यान काडिल्लें तें चित्र म्हाका केन्ना केन्ना हाताकडें मेळटा आनी त्या दिसाचे घडणुकेचो एक सुखदिणो मोरपिशी स्पर्श म्हज्या मनाक जाता. पूण त्या सुखाकूय वेदनेची एक देग आसा. खंय आसा काय तो भुरगो आतां ? कलेच्या क्षेत्रांत कितें कितें करूंक पावलो काय ? काय कोणाचे पेडयेर मान मोडसर लेजरबुकांत हिशेब बरयता ? आनी म्हज्या मनाचेर चर्र करून तेलाचो चुरचुरीत थेंबो पडटा आनी थंय तटतटीत फोड उदेतात...

अकरावेचे एक लेक्चर हांव ॲनेक्स बिल्डिगेंत घेतां. मेन बिल्डिंगेकडच्यान दोन-तीन मिनटां चलून वचचें पडटा. आर्टसाचीं हीं भुरगीं दनपरां पाऊण बरांचेर मेन बिल्डिंगेमुखावेल्या रस्त्यापलतडीं काजूच्या झाडा पोंदा म्हजी वाट पळयत उबीं आसतात. म्हजीं सकाळचीं सायन्साच्या क्लासाचीं लेक्चरां सोपोवन हांव पाऊणांक रस्त्यार पावलें. झाडापोंदा भुरगीं टिवल्यो-बावल्यो करीत उबीं. (टीचर येना जाल्यार पुरो असो भाव तांच्या चहेऱ्याचेर हरशीं म्हाका वर्साक बारा दीस कँज्युअल ताचेवयर लीव्ह कशी मेळटली ? हांव बरी घेयन, पूण भुरग्यांक उमेद, टीचर रजा घेत आना लेक्चर चुकत ..)

पयर हांव रस्तो क्रॉस करून पलतडीं गेलें. एकलो भुरगो म्हजेकडेन धांवत आयलो आनी ताणे म्हाका चार-पांच अमुरपिक्यो चिचो दिल्यो. "टीचर तुका चिचो हाडल्यात वे." हांवे त्यो स्विकारल्यो कितें तरी म्हणूंक जाय म्हण हांवें म्हळें. "आरे, ह्यो खंयच्यो ?"

"टीचर, त्यो पेद्रिनाच्या भाटांतल्यो."

"हें पेद्रीन कोण ?"

"टीचर, टी. व्हाय. बी. अेक तो वस्त्यांव आसा न्हय ताची माय" (हांव खंय वळखता त्या वस्त्यांवाक ?)

"आरे, ताका तुमी पेद्रिनाचेशें भाट म्हणटात ? वस्त्यांवाच्या वा ताच्या पायच्या नांवान भाटाक किद्याक वळखनात ?"

"टीचर, वस्त्यांवाचो पाय, पेद्रिनाच्या मांयचो घरजांवय." (आतां म्हजे तकलेंत इल्लो इल्लो उजवाड पडूंक लागलो.)

परमेश्वरा ... कितल्यो ह्यो राटावळी ... आनी पेद्रिनाच्या मांयचो, वस्त्यांवाचो पाय हो

घरजांवय .. म्हणून हयो चिचो 'पेद्रिना' च्या भाटांतल्यो ही नवी माहिती मेळोवन (अ नी गोंयच्या किरिस्तांव समाजांतली घरजांवय पद्धत आनी चलो/चल्यांक इस्टेटीची समान वाटणी या विषयाचेर विचार करत) हांव क्ला .रूमांत आयलें. चिचो मेजार दवरल्यो आनी शिकोंवक सुरवात केली.

हांव शिकोंवक सुरवात करता थंय आसा मदींच सगळीं भुरगी हांसूंक लागलीं. खि: खि: खि: एकलो हांसता म्हण दुसरो हांसता. क्लासांत शिकयतां शिकयतां कारण नासताना मदींच अशीं भुरगीं खिक् करून हांसलीं म्हणटकीर टीचरीक आनी आनी तोंड आसा ? हरशीं हांव असल्या गांजुडयांक मातपसून भियेवपी न्हय. पूण कारण नासतना हांसतात म्हणटकीर हांव कांचवेलें आनी ल्हवूच म्हज्या ड्रेसाकडेन लिपचोरयां पळोवन घेतलें. (कसलीच माणसुकी ना म्हजेफुडे ? एक दीस हांव कॉलेजांत अदर्धा वाटेर एक चप्पल एके तरेचें तर दुसरें दुसरें तरेचें घालून गेल्लें.)

तीं खि: खिं. खि: करतात आनी हांव नव्हर्स जातां मागीर तिडकून तांबडेंच जातां. ल्हानांनी व्हडांक हांसप हाचेसारकिली दुःख जावचेली गजाल आनी हया जगांत दुसरी ना. पूण हीं स्टुडंटां हे दुखयोग आमकां दिसपट्टे खावयतात आनी आर्मिय हीच 'गुरूदक्षिणा' म्हणून खुशाल जातात. (हरशीं म्हाकाय कारण आसू नासूं हांसूंक येता. चड कित्याक ? शोक सभेंत दोन मिनिटां स्तब्ध राव म्हण्टात तेन्ना पसून येतात आनी आनी म्हाका लज आसा, कारण नासतना हांसू नाकात म्हण भुरग्यांक तापयतना ?

परत परत म्हजें लक्ष मेजार दवरिल्ल्या चिचांकडेन वतालें. आनी एक तांबडेंच चिचेबोट तोंडांत घालून 'खट' आवाज काडीत चोखचें असो म्हाका जबरदस्त मोह जांवंक लागलो पूण हांव टीचर. टीचर्चो पेशा म्हणचे 'सतीचे पायण', टीचरीचो पेशा म्हणचे सांदिपनी, द्रोजाचार्याची परंपरा. आनी हांवें कशें क्लासांत शिकयता आस्तना चिचेबोट खावपाचें ? (क्लासांत कोणेय च्युइंग गम चोखल्याचो म्हाका मातपसून भास जालो जाल्यार हांव त्या भुरग्याक रस्त्यार वचून 'थुकून यो' म्हण सांगता पूण हांवूय तांचे पिराचेर तेंच करतालें. शाळेंत आसताना टोचरीचो नदर चुकोवन भरपूर बोरां खातालें आनी बाकापोंदा बोरांच्या गुटयांची हीऽऽऽ रास करतालें. दुसऱ्या दिसा प्यून बाकापोंदच्यो गुटयो झाडटना पोरांक भरपूर गाळी मारतालो.) निमाणकडेन त्यो 'म्हाका खा, म्हाका खा' म्हणपी चिचो म्हज्यान पळोंवक नजो जाल्यो आनी हांवें त्यो म्हजे पर्सीत मोखून मारल्यो आनी झीप ओढली. प्रलोभनां मुखार आसत म्हण आमी पेडुेर जातात. प्रलोभनांक बळी पुडचें न्हय म्हण आमकां दोळ्यांमुखावेले मोह कुशीक काडचे पडटात. केदी ही अगतिकता आनी अधोगती.

हांवें चिचो पर्सीत माखेतकीर पोरां खि: खि: खि: करून हांसलीं आनी म्हज्या मनांतले भाव तांकां कळ्ळे जायत हया विचारान म्हाका लज जाली आनी हांव बगीबेगीन व्हडलो ताळो काडून शिकोवंक लागलें.

इतले म्हणटा म्हणसर एके चलयेक घुंवळ आयली. ढण् करून तें सकयल पडलें. भुरगीं आनी हांव थय धांवलीं घुंवळ आयल्यार कितें करतात हाची हांवें थिअरी आयकल्ली पूण प्रॅक्टिकल करून पळोंवक नासलें हांवें पयलीं चल्यांक कुशीक काडलें. ते बरे उमेदीन (काकूट बाबडयांची) ओणव घेवन ताच्या तोंडाकडेंन पळयताले. शाळेतल्यान निकतींच भायर सरिल्लीं कवळीं, निर्मळ, निष्पाप मनाचीं हीं भुरगीं.

हांवें ते चलयेक सरळ न्हिदयले हेर

चलयांक वारो घालपाक सांगलें. तांणी धा-बारा बुकां घेवन वारो घालूंक सुरवात केली. (त्या बुकांतल्यान पत्रां, नोटी, नोट्स, नटांचे /नटयांचे फोटो ते चलयेच्या तोंडार पडूंक लागले ताका वारो घालतां घालतां भुरगीं पुस्तकांतल्यान पडिल्ली आपली इस्टटे एकठांय करूंक लागली, हांव उकिडवें ताच्या म्हज्यांन बशिल्लें. घुंवळ कान्नीक आनी म्हाकाय वारो पडटालो. भुरगें सावध जायना. म्हाकाय कितें करचें तेंच कळना जालें. हांव उकिडवें बसला म्हण एकलो स्टुडंट मदींच 'खि.क्' करून हांसलो. (निर्मळ, निष्पाप मनाचीं भुरगीं. वा वा.) म्हाका ताचे फाटीर एक धुमको घालिनसो दिसलो.

इतल्यान ते चलयेचे दोनूय हात सकयल – वयर जांवंक लागले. बारीक, दुबळें चली दनपरां दोन उंड्यो बेगीबेगीन तोंडांत उडोवन खंयच्यान, खंयच्यान बसींत हुमकळून, ह'फ टिकेट म्हण क्रंडक्टरांकडल्यान तापोवणी खायत वाबडीं शिकूंक येतात. दनपारचें कडकडीत वत लागता. हें भुरगें वाबडें दनपरां जेंविल्लें तरी काय ?

पयर एके चलयेक, तें सद्दां क्लासांत उसरां येता म्हण हांवे तापयिल्लें. ताणे म्हाका काकुटेन सांगलें : टीचर, मांय उसरां येता· तोमेरेन म्हाका घरांत रावचें पडटा.

"मांय, खंय वता तर ?"

"टीचर, मांय नुस्तें इकूंक वयता."

हांवें आनी तोंड वयर काडलें ना क्लास सोंपतकीर ताका मेळोवन घेवन सांगलें. "वाय गो, तुका जें कितें चुकता, तें हांव क्लास सुटतकीर शिकयतां आं." काकूट ह्या गरीब भुरग्यांची नाजाल्यार पणजतल्या कांय शाळांच्या दारांत केजीतल्या एका गांजुड्डा भुरग्याखातीर गाडी, ड्रायव्हर, चेडूं आनी ताची फुल मेकअप केल्ली आवय सकाळीं आठ ते बारा वरामेरेन शाळेच्या आवारांत तिष्ठतात. अशी एक गाडी न्हय तर शेकडचांनी गाडयो. असो अनाठायी खर्च करपाक हो पयसो खंयच्यान येता ? हो पैसो, सरकाराचो काय स्वतःचो ? कितलो हो पैशांचो, मनुष्यशक्तीचो अपव्यय...

सरकारान सरसकट सगळ्यांक शिक्षण फुकट केलां. तें खऱ्यांनीच करचें न्हय ? येदोळचे ते नुस्तेकान्नीच्या चेडवाक मात तें फी आसूंकच जाय. हेराकडल्यान चड पैशे घेवन हेर गरीब भुरग्यांखातीर तें वापरूंक येतात.

ते चलयेचे ते थरथरपी दोनूय किडकिडीत हात हांवें धरले. तशे ते अवस्थेंत आपल्या दोनूय हातांनी ताणे म्हाका घट्ट धरलें. तें चली घुवळीत आसा पूण ताच्या त्या दुबळ्या हातांनी तें म्हाका वेंग मारपाचो यत्न करता ते हात खंयतरी माया, प्रेम सोदतात अशें म्हाका दिसलें. म्हाका ताच्या त्या काकुटवाल्या स्पर्शाची भूक वेगळीच दिसली. शेणील्लें पाडूक गायक सोदता तशें ? हांवें हेर भुरग्यांक विचारलें.

"आगो, कशी आयली आसतली ताका घुवळ ?"

"टीचर, ताका सकाळीं सगळो वावर करचो पडटा. तें रांदून बी येता."

"रांदून म्हणचे आवय खंय वता तर?"

"टीचर, ताका अ वय ना. ताची आवय ल्हानपणांतूच मेली." तें भुरगें सकयल धर्तरेचेर न्हिदलां. आनी "टीचर ताची आवय ल्हानपणांतूच मेली" हीं उतरां आयकनाफुडें म्हज्या काळजाक खोल घाय जालो. येदोळचे ते तानेन व्याकूळ ज ल्या स्पर्शाचें रहस्य म्हाका त्याच वेळार कळलें. आनी म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां झरूंक लागली.

अशीं हीं कितलीशींच भुरगीं हांका जाय तें थोडेपसून मेळना आनी परत एकदां गाडयेंत दिसमर तिष्ठपी त्या ड्रायव्हर, गाडी, चेडूं आनी बेकारथवय आवयांची म्हाका याद जाली.

हांवे देवाक म्हळें 'काय्ये दुःखतप्तानां प्राणिनामार्ति नारानम् !' दुःखान त्रासून गेल्ल्या ह्या दीन दुबळ्यांच्यो व्यथा पयस कर ... हांव आनी कितें करतलें ? म्हज्या दुबळ्या, मोटव्या हातांनी हो येदो व्हडलो वावर जातलो काय ?

हांवें इतले म्हणसर दोन भुरग्यांक उदक हाडपाक, दोन भुरग्यांक हेर टीचरीक आनी दोन भुरग्यांक ब्रिन्सीपलाक आपोवन हाडपाक धाडलें. दोन भुरगीं 'दोंतोराक आपोवन हाडूं काय ?' म्हणटालीं. (आतां दोतोर हाडपाचो निणय हांवूच कसो घेंव ? म्हजे वरिष्ठ कॉलेजांत आसा न्हय?) इतल्यान शेजारच्या शाळेंतलीं केजीतल्या पिरायेचो दोन भुरगीं वतालीं, तांची उदकाची बाटलीच ह्या भुरग्यांनी काडून घेतली आनी खरशेत खरशेत धावून येवन म्हाका दिली. तोमेरेन त्या धाकटचा भुरग्यान जमनीर देह घालून घेवन हात-पांय आपटुपाक सुरवात केल्ली. उदकाची देड पयशाची बाटली काडून घेतल्यार केजीच्या भुरग्याचो हो आकांत आनी हांच्यो आवयो मात हांचो ओगीच हुस्को काडटात. हीं भुरगीं टीचरीकपसून विकून ताचे चणे घेवन खातलीं.

मागीर टीचरी आयल्यो. सगळो बोवाळ घुवळकान्न उठून बसली. हांवें ताचेर उदक मारमार मारून ताचो बाबडचाचो पंजाबी ड्रेस भिजोवन उडयिल्लो. हांवें मिरसांगो शिंपतात तशें ताच्या तोंडार उदक मारिल्लें. हाचेखातीर प्रत्येक टीचरीक सरकारान फर्स्टअेडाचें ट्रेनींग कंपलसरी दिवक जाय अशें म्हाका दिसता.

दुसरे चलयेक बरोबर दिवन ते चलयेक आमी घरा धाडलें इतल्या बोवाळान लेक्चर बाबडें गेलें. लेक्चर घेनास्तना सोंपलें म्हण हेर भुरग्यांक केदी उमेद जाली. खरें म्हळचार लेक्चराक येवंक तांका आवडटा. सुरू जातकीर तें तांका आवडना. तांका वाज येता. केन्ना काय तें बोअरिंग लेक्चर सोंपता अशें जाता तांका. खंय चुकता ? तांचे काय आमचें ? विचार करपासारखो प्रश्न. आमी तांका आनंद मेळोवन दिवपाखातीर शिकयनात. आमी तांची फकत परीक्षेखातीर तयारी करून घेतात. म्हणून तांकां आमच्या शिकोवपाचो वाज येता. रशियांतल्यान बरयिल्ल्या एका पत्रांत रवींद्रनाथ टागोर म्हणतात – "रशियांत म्हाका समजलें, शिक्षण हें खुपूच महत्वाचें आसा. किद्याक ? शाळेची शीम ही सदच्या जिवितापासून वेगळी ना. फकत परीक्षेची तयारी करून घेवपाखातीर ते भुरग्यांक शिकयनात. एक सर्वांगीण व्यक्ती जावपाखातीर ताका शिकयतात ..." आनी आमी कितें करतात ? आरंभासावन त्रुटित आनी रूक्ष पद्धतीन तांका आमी माहिती दितात आनी तांकां जें शिकयलां तांची पुनरावृत्ती करून तीं परीक्षेत मार्कस् मेळयतात.

दीस वतात... परीक्षा येतात. भुरगीं नापास जातात, रडटात. पास जातात, हांसतात. दीस वतात... ल्हान ल्हान भुरगीं जाण्टी जावन वतात. परत नव्या बर्सा नवीं भुरगीं येतात. नवें तारुण्य घेवन येतात... नवो जोम, नवो उत्साह, नवी सळसळ, नवी उमेद. तेच उमेदीची ल्हारां आंगभर पांघरून आमी टीचरीय जीवनाचो आनंद घेतात. खरें न्हय ?

विद्यार्थ्यांचें हें जग म्हणजे रंगीबेरंगी पिसोळ्यांचे जग. ह्या पनावेल्यान, त्या पानार धांवपी पिसोळीं तांचे फाटल्यान धांवून तांकां धरपाचो हांव यत्न करतां केन्ना पिसोळीं हातांत मेळटात, केन्ना हातांतली सुटून वतात. केन्ना केन्ना हाताक तांच्या पांखांचे रगूच लागतात. हाताक लागिल्ले ते रंग पळयत हांव जीण उमेदीन सारतां...




# वंशावेल

अंगीता माधव शे. नगर्सेकार

"होनीबाय ये होनीबाय नुस्तें घेतलें गे ?" णववारी गुलाबी कापडाचो पदर खोयत गुलाबी ताकतिकेन घरांत भितर सरलें.

आदोळेर बशिल्ले होनीबायचो हात सोय कातता कातना थांबलो.

"ना गो. आयज कांयच मेळेना. आयिल्ली एकटी नुस्तेकान्न व्हेल्ल्यो घेवन. पूण तितल्यो बऱ्यो नाशिल्ल्यो. देखून सोडल्यो. मागीर आनीक कोण आयलीच ना. अजून वेळ जावंचो आसा न्हंय ? पळोवया कितेंय येता जाल्यार !"

"तूं कित्याक सोय कातुंक बसल्या तर ? उठ पळोवया मात्शी. हांव बेग्गीन कातून दिता."

गुलाबीन व्होनीबायक आदोळेवयल्यान उठोवपाचो येत्न केलो. पूण होनीबाय सोय कातीत रावली.

"आयज तरी तू कांयच करू नाका गो गुलाबी. म्हाका बेस्टोच आयज तुजो भंय दिसता." णव म्हयने पुराय भरिल्ल्या गुलाबीच्या पोटार नदर घालीत होनीबायन म्हळें.

"तूं अशें कित्याक म्हणटा गे होनीबाय" काकुळटेक येवन गुलाबीन विचारलें.

"आगो, तुजें पोट पळय कितलें सकयल पावलें तें ! णव म्हयने सोंपले न्हय गो तुका ?"

"हय गे होनीबाय पयले चारूय खेपी णव म्हयने लागता लागताच हांव बाळांत जाल्लें. चारूय

खेपी चलयोच. हेच वेळार चड दीस गेले. देखून म्हाका दिसता, म्हाका चलोच जातलो. गुलाबीचें तोंड उमेदीन भरलें.

होनीबायन सगळी सोय अेकटचांय केली. आदेळी कवळून दवरली. आनी ते सोयेचेर मिरसांग हळदीकुट मिरया, आमठाण घाली.

गुलाबीन बेगीबेगीन वांयचें उदक काडलें. तांबयात घेतलें आनी तें वान धुंवपाक लागलें.

" आगो, नाका बाये तूं वाटूंक बसून राव पळोवया हांव करतां. सगळें हळू हळू "

ताच्या हातांतलो तांबयो घेत होनीबायन म्हळ्ळें

" हँ-नाका गे कांयच जायना म्हाका. पयश घेना गे हांव तुज्या कामाचे ? फुकट करतां काय कितें बसून खावपाक ? हांवे बसप आनी तुवें काम करप ! ना. ना. हांव वांट्टलेंच. तो पर्यंत तू न्हांव्न यो.

होनीबाय मान्न्यात न्हांवपाक गेली. गुलाबीन मिरसांग वाटपाक सुरवात केली.

– वानार रगडो घुंवपाक लागलो तशें गुलाबीचें विचारचक्र धांवपाक लागलें

" काल पावसाचो केदो हुंवार !" येवजुनूच गुलाबीच्या आंगांत थरथरो भरलो. वान्यान तर सामकेंच थैमान मांडिल्लें. केदें व्हडलें म्हसगाचें झाड ! वान्याभरशीं खिणांत मुळासकट तुटून गुलाबीचे खोपीर पडलें. भायली पडवी सगळी जमनीभरवण जाली. खोपयेवयलें मल्लान मल्ल उडून उबंतरा पडलें. घरभर उदक. न्हिदपाक इल्लोय जागो सुको ना.

शेंवतें, आबोलें, मोगरें तिगांय मात थंयच थंडसाणेत न्हिदिल्लीं. इतलें वारें आयलें पावस आयलो उदकांत भिजून सामकीं चिप्प जाली तरी तांकां जाग आयली ना.

धाकटें चाफें मात जागेंच आशिल्लें. ताका गुलाबीचे वेंगेंन पडून ताच्या थानाक तोंड लांवंन न्हिदपाची संवय. आवय वांगडा ताकाय जाग आयिल्ली. अर्दकुटी न्हीद जाल्यान तें व्हडाव्हडान रडटालें. पिरपिरतालें. ताका सकयल दवरलें जाल्यार थंय इल्लोय सुको जागो ना शल्लो. एका वर्साच्या चापयाक आपल्या पोटार बसोवन गुलाबीन रात काडली. म्हन्यांत ताचो घरकार सुकडो एक हात तकलेर दवरून विडयो फुंकीत बसलो.

शेजरा कोणागेरूय न्हिदूंक वचूं येतालें पूण वतली कोणागेर ? आनी स जाणांक कोणागेर तरी न्हीदपाक जागो मेळपाचो ? एकूच भुरगें आशिल्लें जाल्यार जातलें आशिल्लें कशेंय, कोणूय दागत घेन आशिल्लो.

कितलीं पिशेंपणा केलीं ! चलो जाय चलो जाय म्हण एका फाटोफाट एक अश्या चार चल्यांक जल्म दिलो आतां तरी हो पांचवो चलो जाल्यार पुरो. नाजाल्यार परत सव्या खेपो नशीब सोर्तीक लावून पळोवप म्हळ्यार !

गुलाबीक फाटींत कस्स जालें.

रगडो वयर काडून वानाक सगळीकडेन सारयिल्ली सोय ताणे, एकटचांय केली आनी परत वांटपाक सुरू केलें.

" कालचे रातीची खबर होनीबायक कशीच सांगप ना " गुलाबीन मनांतल्या मनांत थारायलें.

" बांगडे जाय गे " – नुस्तेकान्नीन साद घालो.

" आगो, गुलबी भायर वचून पळय गो कशे दिल्या ते बांगडे ! म्हजें न्हांवून जालें. येतां हांव रोखडीच."

गुलाबीन तांबयातलें उदक हातार घेवन वानारूच हात धुले आनी भायर वचपाक म्हुण उबे रावलें ताका परतेंय फाटींतल्यान चडून आयल्ल्यावरी जालें. पोट जड जालें. बोबलेंकडेन तटतटें मारूंक लागले. पायांत मणभर ओजें बांदिल्ल्यावरी जडसाण आयली. तशेंच नज जाता करीत तें भायर पडवेर पाबलें.

" कशे दिले गो बांगडे ?" गुलाबीन विचारलें

'धा रुपयांक चार " – व्हेरान सांगलें. इतल्यान थंय होनीबाय पावली.

" गुलाबी धा रुपयांचे घे गो. हांव देवाक पाय पडून येता "

माथ्यावयलें नुस्त्या पाटें सकयल दवरपाक गुलाबीन पाटचाक हात घालो. पाटे घेवन ओणवें जाल्लें गुलाबी केदोवेळ उबेंच जायना जालें. पोटांत गुळो आयलो. " आवय गे " गुलाबीन सोसूंक नज जावन किळांच मारली

पेटयिल्ली उजवात दिवलेर दवरून होनीबाय बेगीन देवाक पाया पडून भायर आयली. तिणे आनी व्हेरान गुलाबीक हात दिवन उबे केले.

" आवय गे ! होनीबाय आतां आनीं कांयच जायना म्हजेकडे आयज सुट्टा दिसता हांव, फाटींतल्यान चडून येता पळय."

" गुलाबी, हे खेपो तुका चेडो जाल्यार पुरो

सायबिण.. तुजे भोंव म्हाज्याक योग्याक नजो. राव गो. काल राती खंय न्हिदील्लीं गो तुमी ?" व्हेरान काकुळटेन विचारलें.

"खोपींत तशीच रात काडली. धा रुपयाचे वांगडे दो पळोवया होनीबायक." गुलाबीन विशय बदलपाचो यत्न केलो. हळू हळू भितल्ले कुडींत येवन तें बाकार बसलें.

वांगडे आयदनान घेवन पयशे दिता म्हळचार होनीबायन व्हेराकडच्यान गुलाबीची सगळी खबर विचारली. तिका खुब वायट दिसलें. इतलो हुंवार आयलो. खोप उडून गेली तरी गुलाबी एक गुरवार बायल रातभर उदकांत भिजत उली. उपाय नासून. इतलें सोंसलें पूण एक शब्द लेगीत तोंडातल्यान आयलोना· खरेंच सोशीक.

"होनीबाय, होनीबाय," पोटांतल्यो कळा सोसूंक नज जावन गुलाबीन तिका उलो मारलो. होनीबाय भियेली. "कितें जालें गो गुलाबी" नुस्त्या आयदन भितर घेवंन येत होनीबायन विचारलें.

"म्हाका कितें जाता गे होनीबाय देवा, सोडय बाबा म्हाका हातूंतल्यान" गुलाबीन एक किळांच मारली.

किळची आयकून व्हेरान आनी होनीबायन ताका घट्ट धरून थंयच आशिल्ल्या सोफार न्हिदयलें आनी ताचेर एक गोजडी घाली.

"होनीबाय. हें आतां सुटटा दिसता. हांव फुडें वचून तिगेल्या घोवाक रेकाद दितां."

"मात्शे राव गो व्हेरा ताच्यावांगडा हांव ताका रोखडीच ग म कॉफी करून घेवन येता. पोटांत कितेंय आसल्यार बरें. शक्त मेळपाक नाका फॉर्स घालूंक ?"

होनीबाय चार फाती बिस्किटी आनी कॉफी घेवंन आयली. व्हेरान गुलाबीचे फाटींत हात घालून ताका मान्शें उठयलें. हळू हळ करून कॉफेंत भिजोवंन चारूय बिस्किटो ताका खावयल्यो. गरम गरम कॉफी पिवपाक दिली.

कॉफी पितकच गुलाबीक मात्शी तरतरमाण आयली इनलें मजगतां होनीबायन आपल्या घरकारणाक फोन करून टॅक्सी धाडपाक सांगली.

व्हेरा सुकडयाक आनोवपाक फाटल्यान कण लागिल्ल्यावरी धांवत धांवत गेलें

होनीबायन उदक सळसळायलें. एके बाटलेंत घालें आनी ती बाटली गुलाबीक दिली. गुलाबी हून उदकाची बाटली पोटार दवरून पोंट शेकत दुक कमी करपाचो यत्न करताले.

होनीबाय गुलाबीच कापड न्हेमली. आमाडो घालो. इतल्यान दारांत टॅक्सी आयली.

"गुलाबी उठ बायें. या आमी चल. टॅक्सी आयली पळय हांव येता तुज्यावांगडा. देवाच्या पायां पड. आपणाक बरेंमशेन सोडय म्हुण सांग.

"देवा सोडय रे बाबा म्हाका हातूतल्यान." दोनूंय हात जोडीत गुलाबीन देवाक नमस्कार केलो.

"होनीबाय तुमच्या आशीर्वादान म्हाका चेडो जाल्यार पुरो. चेडो जाल्यार हांव नया खोपीत रावपाक वतलें. बारश्याक तुमच्या सारकेंच असलेंच गुलाबी कापड नेसतलें खोश्शेन उमेदीन नया खोपींत नयो संवसार करतलें."

सुखाचे कल्पनेतूच गुलाबीचें मुखामळ उजळळें

"आगो, तुका चेडो जालो जाल्यार तुका जाय तसलें गुलाबी कापड हांव म्हज्या पयश्यांनी घेवन दितली"

भायर गाडयेचो हॉर्न जालो तशे होनीबायन गुलाबीक हाताक धरून भायर हाडलें. दाराक चावी करून तीं दोगांय टॅक्सींत बसलीं. होनीबायन टॅक्सी गुलाबीच्या घराकडेन घेवपाक लायली.

घर कसलें ? मोडून पडिलली खोप ती ! खोपये सामकार टॅक्सी थांबनाबरोबर व्हेरा आनी सुकडो भायर आयली. व्हेरान हातांत आशिल्ली कपडयांची पोटली सुकडयाकडेन दिली. सुकडो टॅक्सींत बसलो.

इतल्यान आबोलें, मोगरें आनी चाफ्याक घेवन शेंवतें धांवत आयलें.

"आवो-आवो-" चाफें रडपाक लागलें. "म्हाका घर. हांव येता. आमकां सोडून वचूं नाका गे आवो"

चौगांय भुरग्यांक घट्ट धरून गुलाबी हिमटचा हिमटचांनी रडपाक लागलें.

"तुमकां भाव हाडपाक वयता बायें तुमची आवो रडू नाकात आं !" गुलाबीचे वेंगेतल्यान आपल्यासरी ओडून घेत व्हेरान ताका समजायली आनी भितर व्हेली. होनीबायच्या दोळ्यांतलीं दुकां गळून न्हेसणार पडलीं.

गाडी सुरू जाली. तरीय गुलाबीक चांफ्याचीं उतरां आयकूंक येतालीं.

"आमकां सोडून वचूं नाका गे आवो."

गुलाबीचें काळीज तीळतीळ तुटपाक लागलें. खंयची बुद्द जाली आनी हें गुरवारपण आपणायलें.

ताणे हळूच सुकड्याकडेन पळयलें. हरशीं वाग कसो हुयेली मारवी सुकडो भितरो ससो जावन पोरको करून बशिल्लो. कोणूच अुलयनासली. गाडेक आयकुक येताल्यो त्यो गुलाबीच्यो किळच्योच फकत.

टॅक्सी हॉस्पिटल मुखार थांबली होनीबायन दोतोराक वळख दाखयली. दोतोरान गुलाबीचे नांव, सुकड्याचे नांव आनी बाकिची सगळी म्हायती अेका फोर्मार भरली आनी सुकड्याची सय ताचेर घेतली.

दोतोरान ताका बारकायेन बरें करून तपासलें "ही पार्त अेका वराभितर सुटटली तुमी मात्शी भायर बसात, हे सुटनाबरोबर तुमकां कळीन करता. काळजी करू नाकात."

दोतोराच्या अुतरांनी सुकड्याक आनी होनीबायक मात्शे सू जालें.

गुलाबीक भिल्लेकुडींत व्हेलें होनीबाय आनी सुकडो थंयच भायर बांकार बसली. वेठ सरनसरनासलो. मसणावरीं शांतताय आसली. मदींमदींच आयकूंक येतालयो गुलाबीच्यो किळांच्यो आनी हुयेली.

सुकडो पासयो मारता मारता परत परत देवाकडेन एकूच मागणें मागतालो.

"देवा चेडो दी. देवा चेडो दी. वंशवेलीक फळ दी, धराक दिवो दी. जाण्टेपणाचो आदार दी. पालव दी. देवा चेडो दी. सवाशेर तेल दितां तुका शेनवारा देवळांत व्हरून. देवा चेडो दी.

'आवय गे" – गुलाबीन मोठ्याचान मारिल्ली किळांच आयकून होनीबायचें काळीज तुटलें. ती अेकदम अुबी रावली. दोळे धांपून हात जोडून आशिल्लो सुकडो तिचे म्हज्यांत येवन उबो रावलो. दोगांयचे दोळे आशेन दारार लागिल्ले."

कुडीचें दार उगडलें आनी नर्स भायर आयली. "चेडो जालो. भुरग्याचे कपडे दी." होनीबायन विचारचे पयलींच नर्सीन सांगलें.

सुकडो आनंदभरीत जालो. खोशेन ताणे पोटली सोडून कपडे काडून नर्सीकडेन दिले.

होनीबायचें मन खोशेन भरून आयलें तिच्या दोळ्यांतल्यान खोशेचीं दुकां गळूंक लगलीं गुलाबीक चेडो जालो. ताच्या मनासारकेंच जालें. तिका गुलाबीक केन्ना अेकदां पळयनशें जालें.

"हय गे सिस्टर आमकां भितर वचून ताका, गुलबीक पळोवंक मेळटलें ?"

"मात्शी रावात. भितर कोणाक वचपाक मेळना. तेकाच भायर हाडपाक जाय." –नर्स ताकतिकेन भितर गेली. वतनां तिणे दा बंद करून घेतलें.

होनीबायचें मन घुस्पलें गोंदळ्ळें ओले बाळंतीक रोखडेच कुडी भायर हाडप ? हें आनी नवीनूच !

न्हांवून धुवून लिप्प जाल्ल्या भुरग्याक कपड्याक गुठलावन नर्सीन होनीबायकडेन दिलो.

"अरे सुकड्या, तुजो चलो पळय कसो जाला, गोरो पेट्ट-गुलाबीच-पारको गुलबी-गुलाबीचेच दोळे-गुलाबीचेंच रूप-गुलाबीचोच रंग."

मोटे खोशेन आनी उमेदीन सुकड्यान चेडयाक आपले वेंगेत घेतलो. "म्हाजे वंशवेलीर लागिल्लें हें अपुरबायेचें फळ. म्हागेल्या कुळाचें नांव वयर काडटलो म्हागेलो चेडो-अपुरबायेचोच–" अशें म्हणीत ताका वेंगायत रावलो.

"होनीबाय, सगळ्याक सांगून येता. वतना थोडे पेडे व्हरतां भुरगो खोशगी जातलीं. व्हेरा रावला आसतलें तांच्यावांगडा-म्हागेली वाट पळयत. वतां आनी रोखडोच येतां."

हातातल्या भुरग्याक ताणे होनीबायकडेन दिलें. इतल्यान स्टेचरार घालून गुलाबीक दोगां बायलांनी भायर हाडलें.

गुलाबी सुस्त न्हिदिल्लें. सांसणाचें धवो चादर पांगरून चेडो जालो म्हुण तोंडार फांकिल्लो हांसो घेवन. सुकडो थंयच्या थंयच सुकलो. ताचो आपल्या दोळ्यार विश्वास बसना जालो कितें येवजिल्लें आनी कितें जाले ! "गुलाबी गुलाबी तुजो बळी दिवन म्हाका हो चेडो नाका आसलो. देवा, देवा कितें मागलें आनी हाताक कितें लागलें ! आतां फुडें कशें !"

सुकड्याक फुडली कल्पनाच करपाक जायना जाली.

चेडयाक हातांत तसोच घेवन होनीबायन सकयल बसकण माल्ली. तिज्या दोळमुखार काजुले नाचपाक लागले.

"गुलबी, तुज्या भुरग्यांक अर्ें बाय्यार सोडून तूं खंय गेले गो? तांका आतां कोण मायेन लागीं करतलो ? कशी मेळत तांका आवयची माया कोण दित तांका आवयचो खरो मोग ? गुलाबी; गुलाबी हें बरें जालें ना. चेडयाक लागून तुवें आमकां फाट फिरयली. तुजी एक अित्सा पूर्ण जाली पूण."

ना. गुलाबीच्यो सगळ्यो अित्सा पूर्ण जाल्ल्यो. होनीबायक गुलाबी आतांय सांगडा करते दिसलें.

"होनीबाय, म्हाका चेडो जाल्यार पुरो. चेडो जालो जाल्यार हांव नया खोपीत रावपाक वतलें. खोशेन - उमेदीन नया खोपीत - नवो संवसार करतलें. खरेंच गलाबी तुजे अित्सेपरमाणे तूं नया संवसारात विलीन जालें.' होनीबायन अेक व्हडलो सुस्कारो सोडलो.

"उठ सुकड्या आता रडून उपेग ना. तूं हांगा राव. हांव तुगेल्या चेडयाक घेवन फुडे वता म्हाका अेक गुलाबीच कापड विकतें घेवपाक जाय. तुगेल्या गुलाबी, गुलाबीक न्हेसोवंक."

व्होनीबायच्या दोळ्यांतल्यान भळभळीत गळिल्ली दुका गुलाबीच्या चेडयाक गुठलायिल्ल्या गुलाबीच कपड्याचेर गळ्ळी.

*With Best Wishes from*

# G. R. PRABHU GAONKAR

ENGINEERS, CONTRACTORS, ESTATE DEVELOPERS

Office :

403, Rayu Chambers,
Atmaram Borkar Road,
Panjim-Goa 403 001
Ph : 42139

Ref :

4, Siddarth Apartments,
Tonca Caranzalem,
Goa 403 002
Ph : 45031

*With Best Compliments from :*

# S. R. TILVE
# TILVE
# REAL ESTATE

Builders, Givil Contractor &
Real Estate Developers

Deulwada, Opp. Gas Agency,
MARCELA - GOA

पयल्या इनामाची कविता

## तुमी म्हणिल्लें

मेल्या उपरांत म्हजे
चितेची राख
देशभर शिवरायात
तशेंच केलें
तुमची राख धर्तरेर
दर्यांत, न्हंयेंत शिवरायली
मळबांत उडपी विमानांतल्यान
तोखणायेच्या हातांनी हें
काम बेसबरें केलें.
तेखातीर पंडीत नेहरू
तुमी चितेस्त जावंनाका
गंगा आनी हेर संगमय
धन्य जाल्यो तुमचे राखेन
भस्माच्या कलशाचें विसर्जन केलें
आनी तुमची निमणी इत्सा पुराय केली
पूण प्रश्न पडटा तो हो
हे भुयेंत पीक
न चुकतां येतलें
पूण किड्यांचें झगडप
थांबतलें व्हय !
राखेन भरिल्लें उदक
शीतळ आनी पवित्र जातलें
पूण भितल्लीं मगरां
वतलीं तरी खंय !

– प्रमिला होबळे

दुसऱ्या इनामाची कविता

## अर्दकुटें

हांव सावळी सुक्या झाडाची
जिचो लोकांक उपेग ना
हांव खार उदक दर्याचें
जाची कोणाक आवड ना
हांव काळोख उमाशेचो
उजवाडाचेर तोलना
हांव माती वांजोटी
झाडाची जाणविकाय ना.
हांव पक्षी पिंजऱ्यांतलो
जाका घोटेराची ऊब ना
हांव झाड बागवलां
केन्ना मोडत सांगूं येना
हांव एक मोडकें घर
मनशाचो जाका वास ना
हांव कोगूळ म्होवाळ गावपी
पूण ताळो सरांटला
सगळ्या वाटांनी हांव तुटलां
आनी अर्दकुटें जालां

– प्रिया मावजे

तिसऱ्या इनामाची कविता




## – अस्तुरी -

आवय, धूव, भयण
माय, बायल, सून
जितलीं म्हुण रुपां
तितलीं तांचीं अप्रुपां
संवसाराची कस्तुरी
पूण सुरवेक एक अस्तुरी
काल मेरेन चार वणटींत
आसलो तुजो संवसार
पूण आयज जाला तुका
समाजच चार वणटींचो
आयज अन्याय, अत्याचार,
बलात्कार, गुलामीच्या रुपान
तुजें जिवीत खिळायलां
जिवीतूच मरण फावो जालां
जायते फावट ह्या सगळ्यांक
तूंच दिता पालव
दोळ्यांत माती घालून
तुजीच तूं लायता वाट
तुवें तुज्याच रुपाक विसरून
तुजोच केला विस्वासघात

शेणयलां तुवें आदलें रुप
बदलत्या काळा बरोबर
तुजो भेस बदलला
पूण बदलूंक ना तुजें मन
बदलूंक ना तुजी वांकडी नदर
बदलत्या रुपा बरोबर.
एकेवटेन अन्यायान हुलपताना
दुसरेवटेन तूंच तुका हुलपयता
एकीकडेन तूं रडटा तर
दुसरेकडेन तूं खिदळता
हा उतरां बरयताना
म्हजेय हात रगतान माखल्यात
दुकांच्यो झरी व्हांवल्यात
म्हुण एक तुजेंच रुप
अशी एक अस्तुरी तूं.

– अमिता गावणेकार

उन्मेजनार्थ – १

## रित्या आयदनाचो आवाज चड

हो संवसार म्हळ्यार एक व्हड नाटकूच
आनी त्या नाटकांतलीं आमी सगळीं पात्रां
ह्या संवसारांत घडना कितें आनी घडटा कितें
हाचो हिशोब लावप भोव कठीण
एकट्याक नागडो म्हळो जाल्यार
एका हातान धाप्तलो
आनी दुसऱ्याक पळोवन
तूं नागडो म्हण खो खो करून हांसतलो
ही रितूच ह्या संवसाराची
तातूंत कोण चुकलोना
समाजसेवेच्या नांवार बोणको फोडटलो
आपूण साव म्हण लोकांक दाखयतलो
आपल्याभितर चोरतलो, मनाक नागयतलो
समाजाक दिवन देखी
खासा आपणाक पुजतलो
आपल्या माथ्यार आयलें तशें
पयस वचून बसतलो
असलो हो खेळ सदांच ह्या संवसारांत चलपाचो
फोट कितें, खरें कितें
हाका ना अर्थ कितें ?
राजकारणाच्या नांवार फोगोट्यो फोडटा
पेटोवन सोपल्यो, आवाज सोपलो
मागीर तूं कर कसलींय कर्मा थंय
तुका व्हड नामना
कळना तुका माती-गोबोर
तरीय तूं मंत्रीनाथ
बरो बरो करून लोकांनी दिलो निवडून
कांय किसांनी बसलो तुमच्या माथ्यार
आनी तोंडांत तुमच्या .... त्या
जाचेकडेन विचारांची गांठ ना
ताका बरें बायट कळटा भोव !
चितपाकय ताका सवड खंय ?

म्हजो देश, म्हजो देश करीत
दीस गेलो सारीत, घर आपलें भरीत
मागीर ताचीं तड्डकां सुदारणा करपाची
भाशणा फुलोवपाचीं, देशाक माड्डीत
आपणे बरें जियेवपाची
पापां धुवन वचचीं ना, पयसो सोपचो ना
मागीर एकूच उपाय देवाफाटल्यान धांवपाचो
देवळां उबारपाचीं हीं मागीर पुण्याचीं कर्मां
समाजाक दाखोवपाचीं
एकदां चोरलें, मागीर कोणेय चोरूं
तोच चोर ...
चोर म्हणटा, मागीर चोरचे बगर
हावें कित्याक रावचें फाटीं
पापां फकत म्हाकाच लागता
चोर म्हण हांवूच गावता
व्हडाव्हडांनी व्हांवयल्यो दुडवांच्यो न्हंयो
पूण ते साव आनी आमचे फाटल्यान धांव
सैतान हांगा मातला
भश्टाचार, अन्याय, अत्याचार
केलां तांच्यानी खातोण
मनीसपणाक विसरून व्हांवून नरकांत वचपाचें
हीं आमचीं पिशेपणा
आमी आमकाच फटावपाचीं
देखून कसल्या जैताफाटल्यान
हातभार दुडवांचो
तो फकत रित्या आयदनांनोच वाजपाचो

– प्रफुल्ला आत्मा नायक

उत्तेजनार्थ - २

## बायलमनीस

तुमी ते बायलमनशेक
गाये पाश्ट वागयतात
गळचांत तिच्या दोर घालून
जाय तेवटेन धांवडायतात

काळी पिड्डूक बांदतकच,
हक्क आपलो गाजयतात,
पिंजरीचें लावन बोट,
कपल तिचें रंगयतात.

एकदां दाव्याक बांदतकच,
नांव लेगीत बदलतात.
मौज मस्ती स्वता करून,
वयल्यान तिका दंडयतात.

दीसभर तिका जोताक बांदून,
रातीचीय हांवडायतात,
तिवूय एक मनीस आसा,
हें रे कशें विसरतात ?

बूड तिणें मारल्या पळय,
पेवूंक ती शिकतली,
वस्त्र आंगार ओडलां पळय,
सगळें आंग धांपतली.

भरले घडे पळय आतां,
घसघशीत ओत्तलें,
पावला वेळ बायलमनशेक,
मनीसपण मेळटलें.

**- दलीया मडकयकार**

उत्तेजनार्थ - ३

## तुवें

काजळ भरिल्ल्या दोळचांनी तुवें,
वायटांतलें बरें पळोवचें
वायट कित्याक घडटा
हाचेरूय मात्शें चितचें.

नथ घाल्ल्या नाकान तुवें,
अमृताचीं पक्वान्नां अणभवचीं
अन्नाक पातिशेर कित्याक कायजांण
हाचेरूय मात्शें चितचें.

लाली लायिल्ल्या ओठांनी तुवें,
म्होवाळ उतर उलोवचें
कडू उतरां कित्याक येतात
हाचेरूय मात्शें चितचें.

भांगर मोतयां माणकांनी तुवें,
कुडीक बरें सजोवचें
जीवापरस भांगराक मोल कित्याक
हाचेरूय मात्शें चितचें

मेथयेन भरिल्ल्या हातांनी तुवें,
बरीं कामां करपाक लागचें
पाडचो करण्यो घडटात कित्याक
हाचेरूय मात्शें चितचें.

पांयजणां घाल्ल्या पायांनी तुवें,
सदांच बऱ्या मार्गार चलचें
वायटच मार्ग कित्याक चड
हाचेरूय मात्शें चितचें.

नितळ पवित्र मनात तुवें,
सदांच सुविचार हाडचे
वायट विचार येतातच कित्याक
हाचेरूय मात्शें चितचें.

**- अंजू बांयगणकार**

# श्री वासू पाईक गांवकार

पैंगीण - काणकोण-गोंय

'चित्रंगी' क परबीं

# श्री. सोमनाथ जुवारकार

ताळगांव - गोंय

*With Best Compliments from*

NATIONAL BREWERIES

CORLIM - TISWADI
GOA

*With Best Wishes from*

**M/s NEHA INDUSTRIES**

NAVELIM - SALCETE - GOA

# श्री मा.विन गुदिन्यू

कुठ्ठाळी - गोंय

'चित्रंगी' क परबीं

# श्री. सुरेश परुळेकार

कळंगूट, वेरें-बार्देस-गोंय

# भारतीय जनता पार्टी

गोवा शाखा
मुख्यालय : पणजी गोंय
फोन : २२२५९६

# साहित्य अकादेमी प्रादेशिक कार्यालय

172 मुंबई मराठी ग्रंथ संग्रहालय मार्ग दादर (पूर्व), मुंबई-400 014.
फोन : 413 57 44 फॅक्स : 091-22-4147650
टेलेक्स : 011-71059 SARB IN


## महत्त्वपूर्ण कोंकणी प्रकाशने

*** दोन दंगाळी मात** 45/-
तीकझी शिवशंकर पिळ्ळा
अणकारपी : आर. के. राव

*** डोळ्यांतले किशोर** (बंगाली कादंबरी) 60/-
रवींद्रनाथ ठाकुर
अणकारपी : एन्. एन्. आनंदन

*** दोगी भयणी** 60/-
रवीन्द्रनाथ ठाकुर
अणकारपी : रवीन्द्र केळेकर

*** आनंदमठ** 65/-
बंकिमचंद्र चट्टोपाध्याय
अणकारपी : ओलिव्हीन्यु गोमिश्

*** आयलें आमचें राज्य** (आसामी कादंबरी) 100/-
बीरेन्द्रकुमार भट्टाचार्य
अणकारपी : एम् एल्. सरदेसाई

*** वेंचीक कोंकणी एकांकी** 100/-
संपादक : पुंडलीक नारायण नायक

*** कोंकणी कथा - संग्रह** 65,-
संपादक : चंद्रकांत केणी

*** कोंकणी काव्य - संग्रह** 60/-
संपादक : बा. भ. बोरकर

*** कन्नड साहित्याचो इतिहास** 80/-
र. श्री. मुगळि
अणकारपी जे. बी. मोरायस

*** मल्ल्याळम साहित्याचो इतिहास** 60/-
पी. के. परमेश्वरन् नायर
अणकारपी : आर. के. राव

*** बंकिमचद्र चटर्जी** 15/-
सुबोधचंद्र सेनगुप्त
अणकारपी : प्रकाश जी. थाळी

*** गालिब** 15/-
एम्. मुजीब
अणकारपी : नारायण वादोळकार

*** यदोप राजा** 45/-
सॉफॉक्लिश
अणकारपी : पांडुरंग भांगी

*** लांवां-भुतां** 65/-
हेनरिक इब्सन
अणकारपी : ओलिव्हीन्यु गोमिश्

*** जोवित मळचार सपन** 90/-
कालदेरोन दे. ला. बाकी
अणकारपी : ओलिव्हीन्यु गोमिश्

*** विवेकानंद** 45/-
रोमँ रोलां
अणकारपी : मनोहरराय सरदेसाय

## महत्त्वपूर्ण मराठा प्रकाशने

*** अशी धरतीची माया** (कन्नड कादंबरी) 175/-
शिवराम कारंथ
अनुवादक : रं. शा. लोकापूर

*** एकविंशति** 190/-
रवीन्द्रनाथ ठाकुर
अनुवादक : मामा वरेरकर

*** स्वातंत्र्योत्तर मराठी कविता** (1961-80) 155/-
संपादक : तु. शं. कुळकर्णी

*** निवडक मराठी आत्मकथा** 140/-
संपादक : राम शेवाळकर

*** गजानन त्र्यंबक माडखोलकर** 15/-
अुषा माधव देशमुख

*** मुक्तिबोधांची निवडक कविता** 185/-
संपादक : यशवंत मनोहर

*** ॲनिमल फार्म** 45/-
जॉर्ज ऑरवेल
अनुवादक : श्रीकांत लागू

*** निवडक चि. त्र्यं. खानोलकर** 150/-
संपादक : रवीन्द्र घवी

*** बाळ सीताराम मर्डेकर** 65/-
लेखक : यशवंत मनोहर

*With Best Compliments from*

GOA ORGANICS PVT. LTD.

63, Aquem Alto
Margao-Goa 403 601

*With Best Wishes from :*

SHETYE
UDHYOG SAMOOH

Dauzim, Old Goa

Manufacturers of Airfreshners

*With Best Compliments from :*

# SCOOTER
# CARE CENTRE

Pissurlekar Bldg.
Panaji - Goa

**Spare Parts dealer in all kind**

'चित्रंगी' क आमची परबीं

# एक बरें मागपी

'चित्रंगी' क उपाट यश आंवडेतां

सोबीत छापणावळीच्या कामांखातीर

## अपुरबाय प्रिंटर्स

वळवय, फोंडें - गोंय

*With Best Wishes from*

# M/s SHRI RAMNATH SAW MILL

Phone : 2336116 (Corlim) **SRIPAD Y. NAIK**

SAW MILL OWNER
FOREST CONTRACTOR
TIMBER & FIREWOOD MERCHANT

SAN PEDRO
OLD GOA
GOA 403 402

*If light be to prosperity*
*what nourishment is to growth...*
*...then let a thousand*
*lamps glow in each life*



*Diwali Greetings From*

**MORMUGAO PORT TRUST**

*THE NATION'S PRIDE*

MORMUGAO HARBOUR, GOA 403 803